वर्स 7 ◆ अंक 26 ◆ पानां 8 ◆ मोल ₹ 3.00 / पणजी / मडगांव / गोंय
REGD NO. G-2/RNP/GOA/28/2017-19 ◆ RNI: GOAKON/2016/69208 Facebook.com/Bhaangarbhuin @ Bhaangarbhuin instagram.com/ Bhaangarbhuin epaper.thegoan.net
बुधवार, 13 जुलय 2022
लोकभाशेंत लोकांचो आवाज
भांगरभूंय

»3

नितळ आनी पारदर्शक प्रशासन दिवपाक म्हजें प्राधान्य: ज्योशुआ

बूम बूम बुमराचें धुमशेण

»8

विधानसभेंतल्यान

■ गणेश जावडेकार

नव्या आमदारांचो प्रभाव

सध्या सभाघरांत गडबड वा बोवाळ जायनासताना कामकाज चलतां, ही एक बरी गजाल म्हणपाक हरकत ना. हाचे पयलीं अधिवेशनाच्या पयल्याच दिसा बोवाळ जावन सभाघराचें कामकाज तहकूब जातालें. प्रस्नाक चुकीच्यो जापो दितात, असो आरोप आमदार करताले. हे खेपे अशे प्रकार जावंक ना. पयल्या दोन दिसांचें कामकाज तुळेंत बरेच सुरळीत जालां. हाचें स्रय सरकारा सयत विरोधी पक्षांच्या आमदारांक वतां. सभाघरांत बरेच आमदार पयलेच खेपे वेंचून आयिल्ले आसात. विरेश बोरकार, संकल्प आमोणकार, डॉ. चंद्रकांत शेटये, रुडॉल्फ फर्नांडीस, केदार नायक, प्रवीण आर्लेकार, युरी आलेमांव, व्हेंझी व्हिएगस हे सगले नवे आमदार आसात. ज्येश्ठांचे तुळेंत नव्या आमदारांची कामगिरी बरी जाता. हाचे पयलीं 2012 ते 2017 तल्या विधानसभेच्या कामकाजांत नव्या आमदारांचोच सभाघरांत प्रभाव जाणवतालो. युरी आलेमांव, संकल्प आमोणकार, रुडाल्फ हांणी बरे मुद्दे सभाघरांत मांडल्यात. मंगळारा प्रस्नोत्तराक चार प्रस्नांचेर चर्चा जाली. हातूंतले तीन प्रस्न नव्या आमदारांचे आशिल्ले. प्रवीण आर्लेकार, रुडॉल्फ आनी केदार नायक हांणी मंत्र्यांच्यो जापो आयकून घेवन पुरवणी प्रस्न केले. हाका लागून सभाघरांत सकारात्मक चर्चा जाली. राज्यांत सध्या उटंगाराचो पावस सुरू आसा. पावसाचें प्रमाण वाडलें कांय रस्ते बुडटात. घरांनी उदक घुसतां. तिळारी धरणाच्या उदकाक लागून साळ गांवांत हुंवार येता. लोकांच्या घरांनी उदक वतां. हाचेर सभाघरात बरीच भासाभास जाली. पेडणेंचे आमदार प्रवीण आर्लेकार हांच्या प्रस्नाक लागून घरांनी उदक वचपाचे कारण आनी उपाय येवजण्यांचेर चर्चा जाली. अर्थसंकल्पा वयली चर्चा मात सदचे भशेन बाबत जाली. अर्थसंकल्पाचेर उलोवपाचे सोडून आमदारांनी आपआपल्या मतदारसंघांतल्यो समस्या मांडल्यो.

संपादकीय

भासाभास जाता, पूण समस्या सुटनात

तापमान

चडांत चड	28
उण्यांत उणें	26

शॅर बाजार

सेन्सेक्स	53,886.61
निफ्टी	16,058.30

भांगर-रुप्याचें मोल

भांगर (10 ग्राम) रु. 52,270
रुपे (एक कील) रु. 62,500

दावखूल

महेश दिवेकार



कसलेंच प्रतीक, चिन्न न्हय. फक्त विनोदी मॉर्डन आर्ट तें.

27,647 चौ. मि. जमनीचें बेकायदो रुपांतर

लोबो कुटुंबियांच्या नांवार जमनी: ओडीपींतल्या गैरवेव्हारांचो अहवाल सभाघरांत

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

पणजी : आमदार मायकल लोबो आनी ताच्या कुटुंबियांनी 27,647 चौखण मिटर जमनीचें बेकायदो रुपांतर केलां. ओडीपींत जाल्ल्या गैरवेव्हारा विशीं सभाघरांत सादर केल्ल्या अहवालांत हे विशीं नमूद केलां. ओडीपींत 16.94 लाख चौ. मिटर जमनीचें बेकायदो रूपांतरण जालां, असो उल्लेख आसा.

बेकायदो जमनीचें रुपांतर रद्द करून ती परत मूळ स्वरुपात हाडटले

Change of zone done of properties from RPG 2021 to ODP (Final) of Calangute, Candolim /Marra , Nagoa and Parra Village of Shri Michael Lobo & Fly

Sr. no	Name	village	Survey No.	Area of Property (Zone changed)	RPG 2021	ODP Final
1	Delilah Lobo	Parra	10/9	600	Cultivated	S3
2	Daniel Lobo	Parra	207/3,4,7	1290	No Development Slope	S-3 / Under No Development slope
3	Dream Space Builders C/o Michael Lobo	Nagoa	3/22-plot A	1880	S-3	C-3
4	Delilah Lobo	Marra Candolim	92/1(Part)	5000	Natural Cover	S-2
5	Michael Lobo	Calangute	238/21	1000	S-3	C-2
6	Michael Lobo	Calangute	190/7 plot C	840.62	S-2	S-1
7	Michael Lobo	Calangute	148/4-B	1675	orchard (CRZ)	S-2 (CRZ)
8	Elite builders (Nazri Resorts) C/o Michael Lobo & Others	Calangute	319/2(P), 3(P), 4,7, 322/5,6 & 320/4	4325	Settlement (P), Orchard (P)	C-3
9	Michael Lobo & Gurudershan Singh Chawhan & others	Parra	118/7	10357	Paddy	S-3
10	Michael Lobo & Gurudershan Singh Chawhan & others	Parra	119/6	680	Orchard	S-3
	Total change of zone of prroperties area =			27647.62		

नगर नियोजन मंत्री विश्वजीत राणे हांणी मंगळारा सभाघरांत ओडीपींत जाल्ल्या गैरवेव्हारा विशींचो अहवाल सादर केलो.

ह्या अहवालाच्यो प्रती उपरांत मंत्र्यान माध्यमांक सादर केल्यो. बेकायदो जमनीचें रुपांतर रद्द करून ती परत मूळ स्वरूपात हाडटले. ही सगलीं प्रक्रिया पारदर्शक आसतली, अशें मंत्री विश्वजीत राणे हांणी स्पश्ट केलां. मायकल लोबो, डिलायला लोबो, ड्रीम स्पेस बिल्डर्स, इलायट बिल्डर्स, मायकल लोबो आनी गुरूदेशन सिंग चव्हाणआनी हेर हांच्या नांवार ही जमीन आसा. दरेकी जमनीचो सर्वे नंबर, क्षेत्रफळ, गांव तशेंच जमनीच्या प्रकाराचो उल्लेख अहवालांत आसा.

मायकल लोबो हे पीडीएचे अध्यक्ष आसले. ते भायर ते पीडीएचे वांगडी आशिल्ले. ह्या काळांत कळंगूट, कांदोळी, पर्रा गांवांत जाल्ल्या जमनीच्या रुपांतरणाची म्हायती लेगीत अहवालांत आसा. कळंगूट 6,78,996 चौ.मि., कांदोळी 5,62,481 चौ.मि., हडफडें 2,56,809 चौ.मि., नागोवा 81,903 चौ.मि. आनी पर्रा 1,13926 चौ.मि. जमनीचें बेकायदो रुपांतर जालां. मायकल लोबो हांच्या अध्यक्षपदाच्या कार्यकाळांत वट्ट 16,94,115 चौ.मि. जमनीचें बेकायदो रुपांतर जालां.

2012 ते जुलय 2019 मेरेन मायकल लोबो पीडीएचे अध्यक्ष आशिल्ले. कळंगूट कांदोळीचो ओडीपी मसुदो हो मायकल लोबो हांचे अध्यक्षपदा खाला तयार जाल्लो. हातूंत मायकल लोबो हाचे हीतसंबंध आशिल्ले. सल्लागारा कडल्यान तांणी ओडीपी आपणाक जाय तशे करून घेतले, असो उल्लेख अहवालांत आसा.

कांदोळी, कळंगूट, नागोआ सयत हेर ओडीपी रद्द करून चवकशी खातीर समिती नियुक्त केल्ली. सकयल वाठारांतली शेत जमीन डेव्हलोपमेंट झोन म्हूण रुपांतरीत केल्या. प्रादेशीक आराखडो 2021 तले 'नो डेव्हलोपमेंट झोन' सेटलमेंट झोन म्हूण रुपांतरीत केले. रस्त्यांची रुंदाय उणी दाखयल्या.

हाका लागून येरादारीची कोंयडी जावपाची शक्यताय आसा, अशे अहवालांत म्हणलां. ओडीपी तयार करतना नियोजनाचो उणाव आसा. पर्यावरणीय संवेदनशील वाठारांचो उल्लेख डेव्हलोपमेंट झोनांत केलां.

ओडीपी गैरवेव्हारांची जापसालदारी निश्चीत करपाक समितीची नेमणूक

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

पणजी : ओडीपी गैरवेव्हारांची जापसालदारी निश्चीत करपाक आएएएस अधिकार्यांच्या समितीची नेमणूक जातली. मुखेल सचिवांचो आस्पाव आसपी ही समिती जापसालदारी निश्चीत करतली, अशें नगर नियोजन खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगलें.

ओडीपींत जाल्ल्या बेकायदो जमीन रुपांतराचो अहवाल नगर नियोजन मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सभाघरांत सादर केलो. अहवाल सादर केले उपरांत सांजे पत्रकार परिशदेंत तांणी अहवालाची म्हायती दिली.

ओडीपींत जाल्ल्या गैरवेव्हारांची चवकशी करपा खातीर नगर नियोजन खात्यान समिती स्थापन केल्ली. हे समितींत अधिकाऱ्या सयत नगर नियोजक तशेंच संघटणांच्या

प्रतिनिधींचो आस्पाव आशिल्लो. हे समितीन अहवाल सादर केला. हो अहवाल मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सभाघराच्या पटलाचेर दवरलो. कांदोळी, पर्रा, आसगांव, कळंगूट, नागोआ हांगा बेकायदो पद्दतीन जमनीचें रुपांतर जालां. हे रुपांतर रद्द करून जमीन मूळ स्वरूपांत हाडल्या. ह्या जमनींचे सर्वे क्रमांक अहवालांत आसात. हे विशीं सरकार न्यायालयांत प्रतिज्ञापत्र सादर करतलें. सगलो वेव्हार पारदर्शक आसा.

रस्ते, पाकींग तशेंच हेर सुविधांचो विचार करिनासताना इमारती, प्रकल्पांक मान्यताय दिल्या. सेटलमेंट झोन आसात ते नो डेव्हलोपमेंट झोन केल्यात. हे वाठार परतून सेटलमेंट वाठार केल्या.

बेकायदा जमीन रुपांतरणांत जे अधिकारी गुंतल्यात तांची जापसालदारी निश्चीत करपा खातीर तीन वांगड्यांच्या समितीची नेमणूक जातली. मुखेल सचिवां सयत हेर दोन आयएएस अधिकारी समितीचेर आसतले, अशें मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगलां.

केंद्रीय फुडारी, थळावे फुडारी आनी मुख्यमंत्री हांकां हे विशीं जाणीव दिवन विधानसभेंत हो अहवाल आपूण सादर केलां. जे कितें म्हत्वाचे निर्णय आपूण घेता, तांची म्हायती सदांच पक्षाच्या केंद्रीय फुडार्यांक दिता, अशें विश्वजीत राणे हांणी सांगलें.

ओबीसी आरक्षण निश्चीत

पंचायत वेंचणुको: 19 पोटजातींचो आस्पाव

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

पणजी : गोंय सरकारान केल्ले विनवणे प्रमाण राज्य वेंचणूक आयोगान हेर मागासवर्गीय समाजांतल्या (ओबीसी) 19 घटकांक आरक्षण दिवन पंचायत वेंचणुको घेवपाचे निश्चीत केलां. हे विशींची दुरुस्ती अधिसुचोवणी बुधवारा जारी जातली.

ओबीसींतल्या कुंभार, तेली, शिंपी, ख्रिश्चन म्हार, कलाईकार, पागी, ख्रिश्चन नाभीक, सतरकार, भंडारी नायक, धोबी, नाभीक, कोळी, नाथजोगी, गोसावी, धनगर, विश्वकर्मा, ठक्कर, कोमरपंत आनी रेंदेर अशा 19 पोटजातींक पंचायत निवडणुकां खातीर आरक्षण दितलें, अशें राज्य सरकारान जारी केल्ले अधिसुचोवणेंत म्हणलां.

मजगतीं, पंचायत वेंचणुकां विशीं सर्वोच्च न्यायालयान निवाडो दिले उपरांत वेंचणुको 10 ऑगस्ट दिसाच घेवपाचे सरकारान निश्चीत केला. तातूंतच राज्य वेंचणूक आयोगान ओबीसींक वगळून वेंचणुकांची अधिसुचोवणी जारी केल्ल्यान ओबीसी लोकप्रतिनिधीं मदीं निरशेवणी पातळिल्ली. हे विशीं कांय जाणांनी उच्च न्यायालयांतूय धांव घेतिल्ली. पूण उच्च न्यायालयान तांच्यो याचिका भायरायल्यो. त्याच काळांत सरकारान ओबीसी आयोगा वरवीं ओबीसी गनगणनेचो अहवाल राज्य वेंचणूक आयोगाक सादर करून ओबीसी समाजाक आरक्षण दिवनूच पंचायत वेंचणुको घेवपाचे निश्चीत केल्ले. हे विशींची दुरुस्ती अधिसुचोवणी जारी करपाची विनवणी वेंचणूक आयोगाक केल्ली. ते प्रमाण वेंचणूक आयोगान आरक्षण दिवपाचें मान्य केलां.

खणींची पावणी: लीज मेळपी कंपनींक आदलेच कामगार घेवपाची सक्ती

मुख्यमंत्र्यांची हमी; 3 ते 4 म्हयन्यांत जातली पावणी

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

पणजी : गोंयांतल्या खणींची फुडल्या तीन ते चार म्हयन्यातं पावणी जातली. कांय लीज खणी विकास म्हामंडळा वरवीं चलयतले. तशेंच पावणेंत ज्या कंपनींक लीज मेळटली तांकां आदल्याच कामगारांक घेवपाची सक्ती करतले, अशी हमी मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मंगळारा सभाघरांत दिली.

सेझा वेदांता कंपनीन कामा वयल्यान काडिल्ल्या कामगारां विशीं दिवचलचे अपक्ष आमदार डॉ. चंद्रकांत शेटये हांणी मांडिल्ल्या लक्ष्यवेधी सुचोवणेचेर मुख्यमंत्री उलयताले. खण वेवसाय गोंयच्या महसुलाचो मुखेल स्त्रोत आसा. ताका लागून खणी बेगिनांत बेगीन सुरू करून अर्थवेवस्थेक घटाय दिवपाचो राज्य सरकारा कडल्यान यत्न सुरू आसा. ते प्रमाण फुडल्या तीन-चार म्हयन्यांत खणींची पावणी जातली. जाल्यार कांय खण लीज म्हामंडळा वरवीं चलयतले, अशें मुख्यमंत्र्यान म्हणलें.

सेझा वेदांता कंपनीन कामा वयल्यान काडिल्ल्या कर्मचाऱ्यांक 15 दिसा बदला 120 दिसांची लुकसाण भरपाय दिवची. तशेंच खणी सुरू जाले उपरांत

➔ पान 2 चेर

100 टक्के गोंयकारांकूच प्राधान्य मेळचें: विजय

खणींची पावणी जाले उपरांत लीज जे कंपनी कडेन वतले ते कंपनीक गोंयकारांकूच 100 टक्के प्राधान्य दिवचे, अशी सक्ती करची. तशेंच ज्यो कंपनी गोंयकारांक प्राधान्य दिवच्यो नात, तांचे कडल्यान लीज काडून घेवपाची हमी मुख्यमंत्र्यान सभाघरांत दिवची, अशी मागणी आमदार विजय सरदेसाय हांणी लावन धरली. ताचेर लीज मेळपी कंपनींनी गोंयकारांकूच प्राधान्य दिवचे, अशी सक्ती सरकार करतले अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

परंपरीक वेवसायिकांक चवथी मेरेन अर्थीक मजत: मुख्यमंत्री

पेड्डेर रस्ते कंत्राटदारां कडल्यान फुकट करून घेतले

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

पणजी : परंपरीक वेवसायिकां खातीर घोशीत केल्ल्या निधीचे चवथी पयलीं वांटप करतले. तशेंच पेड्डेर जाल्ल्या रस्त्यांचीं कामां संबंदींत कंत्राटदारां कडल्यान फुकट करून घेतले, अशें मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी विधानसभेंत सांगलें.

अर्थसंकल्पा वयल्या चर्चेक जाप दितना ते उलयताले. कांय म्हयन्यां पयलीं ज्या रस्त्यांचीं कामां केल्ली, ते रस्ते मॉन्सूनाच्या पयल्याच पावसांत फोंडकुलांनी भरलें. रस्ते पेड्डेर जाल्ल्याचे मुख्यमंत्र्यान मान्य केले. तशेंच ज्या कंत्राटदारांनी ह्या रस्त्यांचीं कामां केल्यांत, तांचे कडल्यान फुडल्या कांय म्हयन्यांत कामां फुकट करून घेतले. उण्या दर्ज्याचें साहित्य वापरून रस्ते केल्ल्या कंत्राटदारांचेर कारवाय जातली, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

कोरोनाक लागून अर्थीक नदरेन संकश्टांत सांपडिल्ल्या परंपरीक वेवसायिकांक दरेकी पांच हजार रुपया दिवपाची घोशणा सरकारान केल्ली. ते खातीर लाखांनी अर्ज आयिल्ले आसून तांची छाननी सुरू आसा. हे येवजणेंतल्या लाबाथ्यांक चवथी पयलीं अर्थीक मजत दितले.

➔ पान 2 चेर

आमदारांचो अर्थसंकल्पाक येवकार, पूण अप्रत्यक्ष टिका

मतदारसंघांतल्यो समस्या सुटाव्यो करपाची प्राधान्यान मागणी

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

पणजी : अर्थसंकल्पी चर्चे वेळार आमदारांनी अर्थसंकल्पा परस मतदारसंघांतल्यो समस्या मांडून त्यो सुटाव्यो करपाची मागणी केली. सत्ताधारी आमदारांनी अर्थसंकल्पाक येवकार दिला, पूण तांणी मतदारसंघांतल्यो समस्या मांडून सरकाराचेर अप्रत्यक्ष टिका केली. आमदार युरी आलेमांव, डिलायला लोबो, रुडॉल्फ फर्नांडीस, गणेश गांवकार, आलेक्स सिक्वेरा, राजेश फळदेसाय, जीत आरोलकार, संकल्प आमोणकार, क्रुज सिल्वा, कृष्णा साळकार हांची भाशणां जालीं.

विरोधी आमदारांनी अर्थसंकल्पाचेर टिका करतना सरकाराच्या कामगिरीचेर नाराजी उक्तायल्या. सरकारान अर्थसंकल्पांत फक्त आंकडेमोड मांडल्या. उदरगती खातीर पयशांची तजवीज ना. हो अर्थसंकल्प म्हणल्यार फक्त

संकल्प आमोणकार

गणेश गांवकार

कृष्णा साळकार

जीत आरोलकार

सोपस्कार आसात. दुरदिश्टीचो उणाव अर्थसंकल्पांत आसा, अशें आमदार युरी आलेमांव हांणी सांगलें.

शिवोली मतदारसंघा कडेन सरकाराची आडनदर जाता. शिवोली वाठार तुयें वीज उपकेंद्राक जोडिल्ल्यान विजेची समस्या निर्माण जाता. पयलीं शिवोली वाठार म्हापशेच्या वीज उपकेंद्राक जोडिल्लो. तेन्ना विजेची पुरवण सुरळीत जाताली. ताका लागून परतून तो म्हापशेच्या वीज उपकेंद्राक जोडचो, अशी मागणी आमदार डिलायला लोबो हांणी केल्या.

तशेंच शापोरा किल्ल्याची पडझड जायत आसा. हो किल्लो दायज थळ जावन आसा. ह्या किल्ल्याची जतनाय घेवपाची गरज आसा. आपत्ती वेवस्थापन कामां खातीर एक जनेल येवजण लागू जावपाची गरज आमदार डिलायला लोबो हांणी उक्तायली.

मागास जाती तशेंच गरीबां खातीर केंद्र आनी राज्य सरकाराच्यो बर्योच येवजण्यो आसात. ह्या येवजण्यांची म्हायती लोकां मेरेन पावना. सरकारान कल्याणकारी तशेंच हेर येवजण्यांची म्हायती लोकां मेरेन पावोवपाची वेवस्था करपाक जाय. ते खातीर खासा सरकारी कर्मचार्यांची नियुक्ती करपाक जाय, अशें आमदार रुडाल्फ फर्नांडीस हांणी सांगलें.

खण म्हाला वयलें निर्गत शुल्क वाडयिल्यान गोंयांक फटको बसला. हें निर्गत शुल्क उणें जावपाक जाय, अशी मागणी आमदार गणेश गांवकार हांणी केल्या. राज्यांतले विजेचे कंडक्टर बरेच पोरणें जाल्यात. हे कंडक्टर बदलपाची गरज आसा. राज्यांतल्या पंचायतींक येणावळीचें साधन ना. पंचायतींक येणावळ येतली, अशी वेवस्था करपाची मागणी आमदार गणेश गावकार हांणी केली.

रेल्वे मार्गाचे दोट्टीकरण, तमनार प्रकल्प तशेंच राष्ट्रीय म्हामार्ग विस्तार प्रकल्पाक लागून पर्यावरणाचे लुकसाण जातलें. सर्वोच्च न्यायालयान लेगीत ह्या प्रकल्पां विशीं सरकाराचेर बडी मारल्या. सरकारान हे तीनूय प्रकल्प रद्द करचे, अशी मागणी आलेक्स सिक्वेरा हांणी केली.

आग्नेल आश्रम ते नुवें मेरेनचो रस्तो राष्ट्रीय म्हामार्ग म्हूण अधिसूचीत जाला. ह्या रस्त्याकुशीक घरां आसात. हेर बांदकामां आसात. हो रस्तो राष्ट्रीय म्हामार्ग जाहीर जाल्ल्याची अधिसुचोवणी रद्द करची, अशी मागणी आलेक्स सिक्वेरा हांणी केली.

कुमारजुवें मतदारसंघांत खारवी समाजाचें प्रमाण चड आसा. हो समाज परंपरीक नुस्तेमारीचो वेवसाय करता. नुस्तेमारीचीं जाळां तशेंच हेर उपकरणां खातीर खारवी लोकांक अर्थीक मजत दिवपी येवजण सुरू

➔ पान 2 चेर

कामत, लोबो हांचे आड अपात्रताय याचिकेचेर अधिवेशना उपरांत निर्णय

सभापती रमेश तवडकार हांची म्हायती

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

पणजी : दिगंबर कामत आनी मायकल लोबो हांचें आड कॉंग्रेस पक्षान दाखल केल्ल्या अपात्रताय याचिकेचेर अधिवेशन सोंपलें उपरांत निर्णय जातलो. सभापती रमेश तवडकार हांणी ही म्हायती दिली.

अधिवेशनाक लागून आपूण तशेंच हेर कर्मचारी व्यस्त आसात. अधिवेशन सोंपलें उपरांत कायद्या प्रमाण ह्या याचिकांचेर निर्णय जातलो, अशें सभापती तवडकार हांणी सांगलें.

कॉंग्रेस पक्षान सोमारा पक्षविरोधी कारवायां खातीर दिगंबर कामत आनी मायकल लोबो हांचे आड अपात्रताय याचिका दाखल केल्या. प्रदेश अध्यक्ष अमीत पाटकार आनी कांय कॉंग्रेस आमदारांनी

सभापती रमेश तवडकार हांची भेट घेवन अपात्रताय याचिका दाखल केल्या. अपात्रताय याचिका दाखल केल्ल्याची म्हायती अध्यक्ष अमीत पाटकार हांणी दिल्ली. आपणा कडेन अपात्रताय याचिका

पावल्या. ताचेर निर्णय घेवप अधिवेशनाक लागून शक्य ना. अधिवेशना उपरांत निर्णय जातलो, अशें सभापती तवडकार हांणी सांगलें.

दिगंबर कामत आनी मायकल लोबो हांणी भाजपच्या संगनमतान कॉंग्रेस आमदारांक फोडपाचे यत्न केले, असो आरोप कॉंग्रेसीचे प्रभारी दिनेश गुंडू राव हांणी केल्लो. तांचेर पक्षा वतीन कारवाय जातली,

अशें तांणी स्पश्ट केले. पक्षांत फूट घालपाच्या यत्ना खातीर पक्षान अपात्रताय याचिका दाखल केल्या.

कैदी विकट भगताचो मोबायल कोलवाळ बंदखणीतल्यान गायब

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

म्हापशें: कोलवाळच्या मध्यवर्ती बंदखणींत घुंवळी पदार्थाच्या तस्करी प्रकरणात बंदखण प्रशासनान दोन मोबायल जप्त करून कोलवाळ पुलिसांक दिल्यात. मात कैदी विकट भगत हाणे कोकेन मागोवपा खातीर केल्ल्या मोबायलाचो तातूंत आसपाव ना. तो सोदून काडपाक कोलवाळ पुलिसांनी बंदखण अधिकाऱ्याक परत एक पत्र धाडलां.

ह्या घुंवळी पदार्थ प्रकरणात पुलिसांनी जेलगार्ड सूरज गावडे, योगेश पागी आनी कैदी विकट भगत हाका अटक केल्या. गावडे आनी पागी सध्या कोलवाळ बंदखणीत आसात. जेलगार्ड पागी हाचे कडेन कोकेन दिवचें अशें भगत हाणे मोबायला वयल्यान पागी हाका सांगल्लें. मात ताणे ज्या मोबायला वयल्यान हो कॉल केल्लो तो सद्या बंदखणींतल्यान गायब जाला.

घुंवळी पदार्थ तस्करीचो हो प्रकार फाटल्या 24 जूनाक कोलवाळ बंदखणीत सूरज गावडे हाका मुद्देमाला सयत अटक केल्या उपरांत उक्ताडार आयिल्लो. गावडे हाचे कडल्यान पुलिसांनी 52 हजाराचें 4 ग्राम कोकेन जप्त केल्लें.

विकट भगत हाका दिवपा खातीर आगोंद काणकोणच्या योगेश पागी कडल्यान आपणे कोकेन हाडिल्लें हे पागीन चवकशी वेळार सांगल्लें.

विकट भगतान आपल्या जेलगार्ड सूरज गावडे हांचे कडल्यान कोकेन धाडपाक खातीर मोबायला वयल्यान संपर्क सादल्लो अशें पागीन पुलीस चवकशेंत सांगल्लें. ते खातीर पुलिसानी विकट भगत हाणे कॉल केल्लो मोबायस सोदून काडपाक बंदखण अधिकाऱ्यांक सांगल्लें. बंदखणीत्ला अंडरट्रायल कैदी विभागांत बंदखण कर्मचाऱ्याक दोन मोबायल मेळ्ळे. मात सीमकार्ड तपासून पळतकूच ते मोबायल विकट भगत हाचे न्हय हें स्पश्ट जालां. विकट भगतान वापरल्लो मोबायस सोदून काडपा खातीर कोलवाळ पुलिसांनी बंदखण प्रशासनाक पत्र धाडून कळीत केलां.

विद्याधिराज स्वामी पुण्यतीथ सुवाळ्याचो जालो समारोप

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

काणकोण: पर्तगाळ मठाचो 23वे वृंदावनस्थ विद्याधिराज तीर्थ स्वामीच्या पयल्या पुण्यतीथ सुवाळ्याचो तीन दिसाचें कार्यावळी उपरांत आयतारा समारोप जालो. आषाढी एकदशी निमतान ह्या सुवाळ्याच्या तिसऱ्या दिसा 24 वरांचो भजनी सप्ता जालो. तातूंत गोंय आनी कर्नाटकांतल्या आयिल्ल्या 20 पंगडांनी वांटो घेतलो.

तिसऱ्या दिसा आयोजीत केल्ल्या तापल्ली मुद्रा धारण कार्यावळीक मठाच्या हजारांनी अनुयायांनी लाब घेतलो. पूज्य स्वामींनी आपूण जावन संक्लपपूर्ती केल्ल्या अनुयायांनी मुद्रा धारण केली. सांजे श्री रामदेव, वीर विठ्ठल हांचे म्हापुजे उपरांत सुवाळ्याचो समारोप जालो. पुण्यतीथ सुवाळो येसस्वी करपा खातीर कर्नाटक तशेंच गोंयांतल्या मठानुयांनी काडाओडी काडल्यो.

म्हापशें पालिकेच्या पोरणे इमारतीचें नूतनीकरण करपाचें काम ऑगस्टांत

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

म्हापशें: म्हापशें पालिकेच्या पोरणे इमारतीचें नूतनीकरण करून तातूंत आथाईद लायब्ररी सुरू करपाचो निर्णय पालिका मंडळान घेतला. नूतनीकरणाच्या कामाक 14 ऑगस्टाच्यान सुरवात करतले. गोंय राज्य नागरी सुविधा उदरगत एजन्सी (जीसुडा) वतीन हें काम करतले. ते खातीर सुमार 3.80 कोटी रुपया खर्च येतलो.

हें काम गोंय विधानसभा वेंचणुकेच्या आचार संहितेक लागून फुडें धुकलचें पडिल्लें. इमारत नूतनीकरणा सयत लायब्ररीचो रचणूक देशांतल्या बऱ्या लायब्ररीं प्रमाण करतले. विद्यार्थी आनी वाचकांक थंय आर्विल्ल्यो सुविधा उपलब्द करून दिवपाचें पालिका मंडळान थारायलां. इमारत मोडपाचे स्थितींत आशिल्ल्यान 2019 वर्सा आथाईद लायब्ररी वाचकां खातीर बंद केल्ली. ही लायब्ररी आदल्या पालिका मंडळान कला आनी संस्कृती खात्याचे सुवादीन करपाचो निर्णय घेतल्लो.

जाता तितले बेगीन इमारत नूतनीकरणाचें काम करून थंय लायब्ररी सुरू करतले अशी म्हायती नगराध्यक्ष शुभांगी वायंगणकारान दिली. लायब्ररी बंद आशिल्ल्यान वाचकांची गैरसोय जाता ही गजाल पालिका मंडळाक खबर आसा ताका लागून नूतनीकरणाक प्राधान्य दितले अशें तिणे सांगलें.

बोर्डें सरकारी प्राथमीक शाळेंत आगळो-वेगळो रान महोत्सव

रान महोत्सवांत वांटेकार जाल्ले बोर्डे प्राथमीक शाळेचे विद्यार्थी.

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

दिवचल: बोर्डें- दिवचलच्या सरकारी प्राथमीक शाळेंत रान महोत्सव सप्तकांत झाडां आमचे इश्ट ही आगळी वेगळी कार्यावळ व्हडा उमेदीन जाली. ह्या वेळार रोप्याक उदक घालून समृद्धी गणपुले हे विद्यार्थिनीन कार्यावळीक सुरवात केली. तिसरे यत्तेंतल्या विद्यार्थ्यांनी दरेकी एक रोप लावून पर्यावरण गीत सादर केलें. तशेंच पर्यारवणाचें म्हत्व सांगपी घोशणा दिल्यो.

रान महोत्सव एक दीस वा एक सप्तक मेरेन मनयनास्तना झाडांक आमचे इश्ट अशें मानून ताचें संवर्धन करीत रावपाक जाय. आमचो देश कृशीप्रधान आसा. शेतकार आमचे अन्नदातें आसात अशें समृद्धीन ह्या वेळार सांगलें. कार्यावळीक मुख्याध्यापिका भारती पेडणेकार, शाळा वेवस्थापन समितीचो अध्यक्ष किरण बोर्डेकार, शाळेचो आदलो विद्यार्थी विनायक सामंत हाजीर आशिल्लो.

कार्यावळीचें सूत्रसंचालन पूर्वा परब हिणे केलें, अर्चना साखळकारान सोयऱ्यांची वळख करून दिली आनी दीप्ती गांवस हिणे उपकार मानले.

वाळपयचो येरादारीचो प्रश्न सुटावो करपाक आज बसका

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

वाळपय: फाटल्या कांय वर्सां सावन प्रलंबीत आशिल्लो वाळपय शारांतलो येरादारीचो प्रश्न सुटावो करपा खातीर बुधवार 13 जुलयाक खासा बसका जातली. वाळपय पालिका मंडळान शाराचो येरादारी आराखडो निश्चीत करपा खातीर बुधवार 13 जुलयाक सकाळीं 10.30 वरांचेर पालिका सभाघरांत बसका आपयल्या. बसके खातीर नगरसेवक, मामलेदार, सामाजीक संस्था, दुकानदार आनी येरादारी खात्याच्या अधिकाऱ्यांक आपयलां.

बाळ्ळी रस्त्यार पीकअप लवंडली

बाळ्ळी हांका लवंडल्ली टॉमेटोची पीकअप. (कॅथी फर्नांडीस)

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

काणकोण: कर्नाटकांतल्या चिकमंगळूर हांगच्या टॉमेटो घेवन गोंयात येवपी केए 18 सी 6998 ही पीकअप राष्ट्रीय म्हामार्ग 66चेर बाळ्ळी हांगा रस्त्या वयल्यान लवंडून पडली. अशीर रस्त्यार फुडल्यान एक ट्रॉली ट्रक येता हें पळोवन ड्रायव्हरान पीकअप दावे वटेन रस्त्याचे सामके कुशीक व्हेली आनी ती लवंडली.

बाळ्ळीचो सामक्या अशीर रस्तो सामको फोणकुलांनी भरला. पीकअप कुशीक घेतली तेन्ना ती रस्त्या वयल्यान कडेन वचून लवंडली अशें ड्रायव्हर फय्याज खान हाणे सांगलें. मंगळारा फांतोडेर हो अपघात जालो. पीकअपतींतल्यो टॉमेटोच्यो क्रेटी दुसरे पीकअपींत घालून मडगांवां व्हरच्यो पडल्यो.

CLASSIFIED

Sit. Vacant

Walk in Interview for Spl Educators-3 (1-OBC, 1- PD, 1-GEN) B.Ed. or D.Ed. in Sp. Edu. on Regular basis, 1-Speech Therapist(BASLP) Regular basis, 1- Occupational Therapist(BOT)-Regular basis, 1- MTS(Xth), on contractual basis till end of 2022-23, at JYOT SCHOOL FOR CHILDREN WITH AUTISM, DAVORLIM, SALCETE on friday 15th July 2022, from 2:30pm to 4pm, Ph. 9404757171.

WANTED

Fr. Agnel Konkani High School (Pry. Section), Sanvordem. Wanted a Multi-Tasking Staff (SSC passed) on contract basis till the end of the academic year 2022-23. Submit hand written application along with bio data and copies of valid testimonials (Employment Card & Residence Certificate) by hand on or before 16-07-2022.

जीएसआयडीसी प्रकल्पांक कळाव; विरोधकांनी सरकाराचेर काडलो फोग

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

पणजी : गोंय मुळाव्या साधनसुविधा म्हामंडळाच्या प्रकल्पांक जावपी कळावाक लागून विरोधकांनी सरकाराचेर फोग काडलो. मेरशें न्यायालय इमारत आसूं वा काणकोणचो रवींद्र भवन, प्रकल्पांचीं कामां वेळांत पुराय जायनात, असो आरोप विरोधकांनी केलो.

कोवीड म्हामारी तशेंच जमीन संपादनाक लागून प्रकल्प पुराय जावपाक कळाव जाता, हे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मान्य केले. आमदार दिगंबर कामत हांणी विचारिल्ल्या प्रस्नाचेर सभाघरांत बरोच वेळ चर्चा जाली.

काणकोणां रवींद्र भवन, मेरशें न्यायालय इमारत, फातोड्डेंची आयटीआय इमारत बरोच तेप प्रलंबीत आसा. ही सगलीं कामां पुराय जावपाच्यो नव्यो तारखो मुख्यमंत्र्यांनी जाहीर केल्यो. काणकोणचे रवींद्र भवन 31 मार्च 2023 मेरेन पुराय जातले. मेरशें न्यायालय इमारत 31 मे 2023 मेरेन पुराय जातली. फातोड्डेंची आयटीआय इमारत 31 मार्च 2023 मेरेन पुराय जातली. तशेंच कुडचडें रवींद्र भवनाचें काम 70 टक्के पुराय जालां. मेरशें न्यायालय इमारतीचें काम 48 टक्के जाल्यार फातोड्डेंच्या आयटीआय इमारतीचे 35 टक्के काम पुराय जालां.

कोरोना काळांत सगलीं कामां बंद आशिल्लीं. आतां सगल्या सामानांचें मोल वाडलां. ताका लागून लागून निविदांच्या खर्चात बदल करचे पडले. या सगळ्या गजालींक लागून जीएसआयडीसीच्या प्रकल्पांक कळाव जाता, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

मडगांवां रावणफोंड पुलाची परतून निविदा

मडगांवां रावणफोंड पूल तशेंच दिवचले प्रशासकी संकूल इमारतीचेर सभाघरांत चर्चा जाली. रावणफोंड पुलाक बरीच वर्सां जाली. हो पूल सध्या धोक्याचे स्थितींत आसा. पुलाच्या कामाची निविदा जारी करून काम प्राधान्यान सुरू करपाची मागणी आमदार दिगंबर कामत हांणी केली.

रावणफोंड पुलाच्या कामाची निविदा तयार जाल्ली. पूण हे निविदेंत त्रुटी आशिल्ल्यान नव्यान निविदा तयार जातली. सप्टेंबर मेरेन निविदा जारी जातली, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. रावणफोंड पुला सकयल रेल्वेचो ट्रॅक आसा. पुला वयल्यान उदकाची पायपलायन तशेंच विजेच्यो सरयो वतात. उदकाची पायपलायन तशेंच विजेच्या सरयांचो विचार करून निविदा तयार करपाची गरज दिगंबर कामत हांणी उक्तायली.

दिवचल बस स्थानक, उजो पालोवपी दळाची इमारत तशेंच प्रशासकी संकूल इमारतीचें काम बेगीन पुराय करपाची मागणी आमदार डॉ. चंद्रकांत शेटये हांणी केली.

दिवचले बस स्थानकाचें काम सुरू आसा. उजो पालोवपी दळाच्या इमारतीचें काम अर्दकुटे दवरून कंत्राटदार पळ्ळो. आतां नवी निविदा जारी करची पडटली. प्रशासकी संकूल इमारतीचें काम टप्प्याटप्पान पुराय करचें पडटलें. प्राधान्यान हें काम हातांत घेतलें, अशें आस्वासन मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिलें.

साडे पांच वर्सां गोंयांत 13 दरोडे, 102 घरफोड्यो

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

पणजी: फाटल्या साडेपांच वर्सांत गोंयांत 13 दरोडे, 102 घरफोडी आनी चोरयो मेळून 2,778 घडणुको घडल्यो अशी म्हायती मुख्यमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी मडगांवचो आमदार दिगंबर कामत हांका विधानसभेंत एके लेखी जापेंत दिल्या. 1 एप्रील 2017 तें जून 2022 मेरेनचे हे गुन्यांव आसात.

2017 वर्सा 3 दरोडे, 27 घरफोडी जाल्यो. जाल्यार 2018 वर्सा 3 दरोडे 18 घरफोडी, 2019 वर्सा 3 दरोडे आनी 11 घरफोडी, 2020 वर्सा 2 दरोडे आनी 13 घरफोटी, 2021 वर्सा 1 दरोडो आनी 28 घरफोटी, 15 जून 2022 मेरेन 1 दरोडो आनी 5 घरफोडेचीं प्रकरणा जाल्यांत

दरोडे, घरफोटी आनी हेर चोरयो जावच्यो न्हय म्हणून म्हामार्गार पेट्रोलींग, पुलीस गस्त घालपाचें काम राज्यांत सगळे कडेन सुरू आसा. दुबावीतपणान फिरपी लोकांची चवकशी करतात. घर, दुकान धनी, सोसायट्यो, शिक्षणीक आनी हेर संस्थाक फावो ती सुरक्षा उपाय येवजण करपाक सांगलां अशी म्हायती मुख्यमंत्र्यांनी दिली.

उपअधिक्षकांची 32 पदां रिकामी

पुलीस खात्यान उपअधिक्षकांची 32 पदां रिकामी जाल्यात ती थेट भरती वरवीं भरतले अशी म्हायती मुख्यमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी एके लेखी जापेंत मडगांवचो आमदार दिगंबर कामत हाका राज्य विधासभेंत मंगळाराक दिली.

गोंय लोकसेवा आयोगाक 15 पदां भरपा खातीर प्रस्ताव धाडला. तांणी गोंय पुलीस सेवा नेमांत दुरुस्ती करचो असो प्रस्ताव धाडला अशी म्हायती मुख्यमंत्र्यांनी कामत हांच्या अनस्टार प्रश्नाक दिल्ले जापेंत सांगलां.

› पान 1 वयल्यान

खणींची पावणी: लीज मेळपी कंपनींक आदलेच कामगार घेवपाची सक्ती

कंपनींनी आदल्याच कामगारांक सेवेंत घेवचे, हे खातीर सरकारान संबंदींत कंपनीं कडेन चर्चा करची, अशी मागणी आमदार डॉ. शेटये हांणी केली.

सेझा वेदांता कंपनीन कामगारांक नोटीस जारी केल्ल्याची म्हायती मेळ्ळे उपरांत आपूण रोखडीच कंपनीच्या वेवस्थापना कडेन चर्चा केली. तशेंच हे विशीं आपूण केंद्र सरकाराच्या संबंदींत घटकां कडेन चर्चा करता, अशी म्हायती मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी दिली.

परंपरीक वेवसायिकांक चवथी मेरेन अर्थीक मजत: मुख्यमंत्री

कोरोनान मरण आयिल्ल्यांच्या कुटुंबियांक सरकारान दोन लाख आनी केंद्र सरकारा कडल्यान 50 हजार रुपयांची अर्थीक मजत दितात. हे येवजणे खातीर सरकारान 1,898 अर्ज आयिल्ले. तातूंतल्या 1,251 अर्जांक मंजुरी दिल्या.

हे येवजणेचो निधी फुडल्या दोन म्हयन्यांत संबंदींत कुटुंबियांच्या बँक खात्यांत जमा करतले. ते खातीर सरकाराक 22 कोटींची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

खणी बंद जाले उपरांत कारभार चलोवपाक सरकाराक उक्त्या बाजारांतल्यान रीण घेवचें पडलें. खणबंदी आसतनाच मदल्या काळांत कोवीड म्हामारीन खवदळ घातलो. अशें परिस्थितींतूय सरकारान रिणाची मुद्दल आनी कळंतर वेळार फारीक केलें, अशें ताणी म्हणलें.

तेच प्रमाण सत्तेर आयले उपरांत फाटल्या 100 दिसांत सरकारान केल्ल्या कामांचें 'रिपोर्ट कार्ड' हालींच लोकां मुखार सादर केलां. तेच पद्दतीन वर्स पुराय जाले उपरांत दुसरें 'रिपोर्ट कार्ड' सादर करतले, अशें मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी सांगलें.

आमदारांचो अर्थसंकल्पाक येवकार, पूण अप्रत्यक्ष टिका

करपाची मागणी आमदार राजेश फळदेसाय हांणी केली.

मांद्रे मतदारसंघांत पयलीच उदकाचो उणाव आसा. मोपा विमानतळा उपरांत उदकाचो उणाव वाडटलो. उदकाचो उणाव पयस करपा खातीर चांदेल प्रकल्पाची तांक वाडोवपाची गरज आसा. मांद्रें सयत पुराय पेडणें म्हाला खातीर उदकाची वेवस्था जावपाक जाय, अशें जीत आरोलकार हांणी सांगलें.

संकल्प आमोणकार हांणी कोळशाच्या प्रदुशणाचो विशय मांडलो. गोवा शिपयार्ड, मुरगाव बंदर, वेदांता अशी बरीच उद्देगीक आस्थापनां मुरगांवां आसात. ह्या आस्थापनांचो मुरगाव म्हालाक लाव जायना,

कोळशाचें प्रदुशण मात जाता. नुस्तेमारीचो परंपरीक वेवसाय करप्यांक होडयो तशेंच हेर सामान दवरपा खातीर सुवात ना, अशी समस्या संकल्प आमोणकार हांणी मांडली.

गोंय सरकार
कार्यकारी अभियंत्याचें कार्यालय
काम विभाग I, डब्ल्यूआरडी, पर्वरी-गोंय

निविदा कळोवणी 1) क्र. 6-9/डब्ल्यूडी I/डब्ल्यूआरडी/एएसडब्ल्यू/22-23/ई-06 तारीख: 11/07/2022 जारी केल्या आनी तीच वांटेकार जावपाक वॅबसायट https://eprocure.goa.gov.in हाचेर प्रसिद्द केल्या.

डीआय/एडिव्हिटी/684/2022

मास्क घालात, समाजीक अंतर पाळात, हाताची नितळसाण राखात.

गोंय सरकार
कार्यकारी अभियंत्याचें कार्यालय
विभाग XIX, पीडब्ल्यूडी, सांगें-गोंय

(फक्त ई-निविदा पद्दतीन)

निविदा कळोवणी क्र.

पीडब्ल्यूडी/विभाग XIX (बिल्डींग्स)/एएसडब्ल्यू/एफ.4/22-23/10 तारीख: 12/07/2022

1. ऑनलायन अर्ज करपाची आनी सादर करपाची निमाणी तारीख: 18/07/2022 दिसा 13.00 वरां मेरेन.
2. ऑनलायन निविदा उगडपाची तारीख आनी वेळ: 20/07/2022 दिसा 10.00 वरां उपरांत.

अदीक म्हायती खातीर कार्यकारी अभियंतो, डब्ल्यूडी XIX, पीडब्ल्यूडी, सांगें ह्या कार्यालयांत संपर्क सादचो.

वॅबसायट: http://eprocure.goa.gov.in

डीआय/एडिव्हिटी/685/2022

मास्क घालात, समाजीक अंतर पाळात, हाताची नितळसाण राखात.

कदंबा येरादारी म्हामंडळ मर्यादीत
(गोंय सरकाराचो उपक्रम)
नोंदणी कचेरी: पारासियो दी गोवा, आल्त पर्वरी, बार्देस गोंय 403521
फोन: 0832-2415901/02/03/2415606 फॅक्स: 0832-2415903
ईमेल: kadambapersonal@gmail.com

संदर्भ: केटीसी/पीईआरएस/51/2022-23/862 तारीख: 12/07/2022

नेमणूक

कदंब येरादारी म्हामंडळ मर्यादीत, पारासियो दी गोवा, आल्त पर्वरी, बार्देस गोंय 403521 हांगा सकयल नमूद केल्लीं पदां भरपा खातीर पात्र उमेदवारां कडल्यान अर्ज आमंत्रीत करता.

अनु.क्र.	पदाचें नांव	पदाची संख्या
01	सहाय्यक येरादारी अधीक्षक	02
02	फोरमॅन	02
03	हॅल्पर मॅकानीक (एमटीएस)	15
04	मजतनीस टिनस्मिथ वेल्डर (एमटीएस)	05
05	हेल्पर/क्लिनर (एमटीएस)	10
06	कण्डक्टर (दिसावड्याचेर)	60
07	अवजड वाहन चालक (दिसावड्याचेर)	40

- वयल्या पदां संबंदीत सविस्तर म्हायती आनी अर्जाचे स्वरूप आमची वॅबसायट www.ktclgoa.com आनी www.goa.gov.in हाचेर अपलोड केल्या.
- वयलीं पदां अनु.क्र. 1 ते 6 अर्ज करपाची निमाणी तारीख 22/07/2022.
- अवजड वाहन चालक (दिसावड्याचेर) ह्या पदा खातीर अनु.क्र. 07चेर मुलाखत तारीख 18/07/2022 दिसा सकाळीं 10य00 वरां पसून निश्चीत केल्या.
- विहीत तारखे उपरांत मेळिल्लो अर्ज, नमुन्यांत, अपूर्ण आनी/वा वयर नमूद केल्ल्या प्रमाण संबंदीत दस्तावेजां बगर, सरसकट न्हयकारतले.
- अनुक्रमांक 6 आनी 7तलीं रितीं पदां वाडपाची शक्यताय आसा आनी ताका लागून तयार केल्ले गुणवत्ता वळेरेंतल्यान तांची निवड जातली.

तारीख: 12/07/2022
सुवात: पर्वरी

सय/-
(संजय एल. घाटे)
सरवेवस्थापक

डीआय/एडिव्हिटी/686/2022

मास्क घालात, समाजीक अंतर पाळात, हाताची नितळसाण राखात.

फोन: 2662207/2662218
फॅक्स: 2662895

केपें नगरपालिकेचें कार्यालय
केपें गोंय

क्र. क्यूएमसी/एमयूएन/एडीएमएन/2022-23/1636 तारीख: 11/07/2022

कळोवणी

हे वरवीं कळीत करता की केपें नगरपालिका मंडळान तारीख 04/06/2021चे सर्वसादारण नगरपालिकेचे बसकेंत सुणो कर उपकायदो 1971 प्रमाण "सुणो कर' चालीक लावपाचो निर्णय घेतला.

वेगवेगळ्या प्रकारच्या वर्गां खातीर आनी दरां खातीर सुण्यांचो कर वसुली डब्ल्यू.ई.एफ. एप्रील 2019 पसून लागू जातली.

नगरपालिकेन निश्चीत केल्ले श्रेणीवार दर लोकांचे म्हायती खातीर सकयल दिल्यात.

सुण्याचें प्रस्तावीत शुल्क

अनु.क्र.	श्रेणी	दर प्रती वर्स
1.	व्हड आकार विदेशी प्रजाती	रु. 300/-प्रती वर्स
2.	ल्हान आकार विदेशी प्रजाती	रु. 200/- प्रती वर्स
3.	सुण्यांची थळावी प्रजाती	रु. 50/- प्रती वर्स

सुण्यांच्या मालकान तांच्या सुण्यांची नोंदणी सुण्यांच्या फोटो वांगडा तात्काळ प्रभावीपणान करची आनी एप्रील 2019 वर्सां पसून ताचे पयशे दिवचे पडटले.

सय/-
(शेणवी शिरवयकार सुचिता सुबोध)
नगराध्यक्ष,
केपें नगरपालिका

सय/-
(मधू जी. नार्वेंकार)
मुख्य अधिकारी,
केपें नगरपालिका

डीआय/एडिव्हिटी/687/2022

मास्क घालात, समाजीक अंतर पाळात, हाताची नितळसाण राखात.

कला अकादमी
गोंयचें नाट्य कला म्हाविद्यालय
(गोंय विद्यापिठा कडेन संलग्न अनुदान संस्था)
पोरणें सचिवालय संकूल, पणजी-गोंय 403001
फोन क्र. 0832-2420450/51

एडिव्हिटी क्र. केएजीसीटीए/आरटीएनटी/2022-23/191 तारीख: 12/07/2022

जायरात

नेमान आनी कंत्राटी पद्दतीन सकयल दिल्ल्यो पदां भरपा खातीर कला अकादमी गोंयच्या नाट्य कला म्हाविद्यालयान पात्र उमेदवारां कडल्यान अर्ज आमंत्रीत केल्यात.

शिक्षकेतर कर्मचारी

अनु. क्र.	पदाचें नांव	पदाची संख्या	नेमणुकेचें स्वरूप
1	यूडीसी	01	नेमान पद्दतीन
2	एलडीसी	01	नेमान पद्दतीन
3	एलडीसी	01	कंत्राट पद्दतीन
4	एमटीएस (कचेरी आनी प्रशासन)	01	नेमान पद्दतीन
5	एमटीएस (जिमखानो)	01	नेमान पद्दतीन
6	सल्लागार	01	ए.व्हाय. 2022-23 खातीर कंत्राट पद्दतीन

- फॉर्म डाउनलोड करपाक आनी गरजेच्या आनी इत्सीक आशिल्ल्या पात्रतेच्या तपशीलां खातीर आमचे म्हाविद्यालयाची वॅबसायट www.kagcta.ac.in ऍक्सॅस करूंक शकतात.
- कला अकादमी गोंयचें नाट्य कला म्हाविद्यालय, पणजी गोंय हांगा जायरात उजवाडाक आयिल्ले तारखे पसून 15 दिसां भितर अर्ज मेळोवपाची निमाणी तारीख आसा.

तारीख:12/07/2022

सय/-
प्राचार्य

डीआय/एडिव्हिटी/688/2022

मास्क घालात, समाजीक अंतर पाळात, हाताची नितळसाण राखात.

नितळ आनी पारदर्शक प्रशासन दिवपाक म्हजें प्राधान्य: ज्योशुआ

मुरगांव नियोजन आनी विकास प्राधिकरणाच्या अध्यक्षपदाचो घेतलो ताबो

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

वास्को: नितळ आनी पारदर्शक प्रशासन दिवपा खातीर म्हजें प्राधान्य आसतलें. कसलोय निर्णय घेतना संबंदितांक विस्वासांत घेतले अशें म्हापशेंचे आमदार आनी मुरगांव नियोजन आनी विकास प्राधिकरणाचे अध्यक्ष ज्योशुआ डिसोझा हांणी काल (मंगळारा) स्पश्ट केलें.

आमदार डिसोझा हांणी काल मुरगांव नियोजन आनी विकास प्राधिकरणाच्या अध्यक्षपदाचो ताबो घेतलो. तांची नेमणूक जावन खूब दीस जाल्ले. पूण तांणी तत्काळ आपल्या पदाचो ताबो घेवंक नाशिल्ल्यान कुजबूज सुरू जाल्ली. पूण तांणी ताबो घेतिल्ल्यान आतां ताका पुर्णविराम मेळ्ळा. मुरगांव नियोजन आनी विकास प्राधिकरणांत चार आमदारांचो आस्पाव आसा. तांचो तशेंच लोकांच्या तेंक्यार कारभार मुखार व्हरपाचो म्हजो यत्न आसतलो. सर्वसामान्यां खातीर म्हजें सदांच सहकार्य आसतलें अशें ज्योशुआ डिसोझान म्हणलें.

ज्योशुआ डिसोझा हांकां येवकार दितना नगरसेवक गिरीश बोरकार, कमलाप्रसाद यादव आनी स्वराज नायक. (अक्षंदा राणे)

डिसोझान मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, नगर नियोजन मंत्री विश्वजीत राणे, प्रदेशाध्यक्ष सदानंद तानावडे, पंचायत मंत्री मॉवीन गुदिन्हो, वास्कोचे आमदार कृष्णा साळकार, कुठ्ठाळीचे आमदार आंतोनियो वाझ हांचे उपकार मानले.

हांगासरल्या बफर झोना संबंदी नौदळाच्या अधिकार्‌यां कडेन चर्चा करून सुवर्णमध्य काडपाचे गजालीक आमचें प्राधान्य आसतलें. सर्वसामान्य लोकांक त्रास जावचो न्हय हे खातीर नगर नियोजन मंत्री राणे लेगीत लक्ष घालतले अशें तांणी म्हणलें.

आमदार मायकल लोबो हे स्वताचो सुवार्थ पळयतात. ते भाजपा सोडून कित्याक गेले आनी आतां ते भाजपांत कित्याक येवंक पळयतात हे तांकांच खबर असोय थोमणो तांणी मारलो.

पालिकेचे नोटिशीक विरोध करतना दुकानदारां सयत संजय बर्डे आनी हेर.

13 दुकानदारांक पालिकेन दिली स्थलांतराची नोटीस

जबरदस्ती केल्यार कायदो हातांत घेवं; दुकानदारांची शिटकावणी

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

म्हापशें: कार्व्हालो पॅत्रॉल पंपा कुशीच्या रस्त्याचे कुशीक आशिल्ल्या 13 दुकानदारांक पालिकेन स्थलांतराची निमाणी नोटीस दिल्या. ह्या स्थलांतराक दुकानदारांनी विरोध केला. पालिकेन जबरदस्तीन दुकानांचेर कारवाय करीत जाल्यार कायदो हातांत घेतले अशी शिटकावणी दुकानदारांनी दिल्या.

म्हापशें ते कळंगूट मार्गार रस्त्याचे कुशीक दुकानां आसात. ह्या दुकानांक लागून मार्गाच्या रुंदीकरणाचें काम आडावन उरलां. ताका लागून ह्या दुकानदारांक पालिकेन पोरण्या आंतरराज्य बस स्टॅण्डा कुशीच्या इमारतीच्या पयल्या माळ्यार सुवात दिल्या. पूण ह्या दुकानदारांक तळमाळ्यार दुकानां जाय. कांय दुकानदार मॅकानीक, लेथकार आनी चावी तयार करपी आसात. ताका लागून आमकां पयल्या माळ्या बदला सकयल्या माळ्यार दुकानां दिवचीं. थंय आमी स्थलांतर जावपाक तयार आसात अशी मागणी तांणी केल्या.

पयल्या माळ्यार दुकानां दिल्यार थंय धंदो कसो जातलो असो प्रस्न तांणी करून दुकानदारांनी स्थलांतर जावपाक विरोध केला.

ह्या दुकानदारांची समस्या मांडटना काँग्रेसीचे म्हणयारे संजय बर्डेन म्हणलें, हे विशीं उच्च न्यायालयांत याचिका दाखल केल्या. तरी लेगीत पालिकेन दुकानदारांक सुवात येता त्या दोन दिसांत खाली करून स्थलांतर जावपाची नोटीस दिल्या. पालिका दुकानदारांक न्यायालयाची धमकी दीत आसा. 19 जुलय दिसा न्यायालयांत सुनावणी आसून ताचे पयली पालिका मंडळ दुकानदारांक धमकायत आसा असो आरोप तांणी केलो.

दुकानदार गजानन नायक हांणी म्हणलें, आमचो रस्तो रुंदीकरणाक विरोध ना. पूण विकासाच्या नांवान सामान्य दुकानदारांचेर अन्याय जावचो न्हय. पयल्या माळ्यार गिरायक येवचें ना, ताका लागून प्रशासनान सकयल्या माळ्यार सुवात दिवची. पालिकेन कायद्याची भिरांत दाखोवची न्हय.

दुकानदार भारत च्यारीन म्हणलें, फाटलीं कितलींशींच वर्सां हांव हांगा चावयो करपाचो वेवसाय करतां. खूबशे फावटी चावी गाडयेक लावन पळोवची पडटा. पयल्या माळ्यार हें काम करप शक्य ना.

सेसा गोवा कामगारांची सांखळे बसका

आतां मुख्यमंत्र्या कडल्यानूच निमाणी आस्त: सिनारी

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

दिवचल: सेसा गोवा कंपनीन कामगार कपात करपाची नोटीस धाडले उपरांत कामगारां मुखार व्हड संकश्ट उबें रावलां. हे संबंदी चर्चा करपा खातीर सेसा गोवा कामगार युनियनाची एक खाशेली बसका काल (मंगळारा) सांखळे रवींद्र भवनांत जाली. कामगार कपात कशी आडावंक शकता आनी फुडली कृती कितें आसची हे विशीं बसकेंत चर्चा जाली.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांकां ह्या विशयाची संपूर्ण जाण आसा. तांकां खण वाठारांतल्या लाकांचे दुख्ख खबर आसा. तेन्ना तेच हाचेर उपाय काडूंक शकतात अशें युनियनाचे सचीव रमेश सिनारी हांणी आपल्या उलोवपांत सांगलें. ते खातीर मुख्यमंत्र्यांनी नोटीस धाडपाच्या 60 दिसां भितर खणीची पावणी करून कामगारांक थाकाय दिवची.

आमोणें, सोनशी, कोडली, वास्को आनी चित्रदुर्ग ह्या वाठारांतल्या खणीचेर हे संघटणेचे सुमार 850 कामगार काम करतात. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे कडल्यानूच आतां कामगारांक निमाणी आस्त आसा अशें युनियनाचे अध्यक्ष देवानंद परब हांणी सांगलें.

ह्या वेळार बसकेंत चडांत चड कामगारांचो वांटो आशिल्लो. कायदेशीर लढो दिवपा खातीर आमी तयार आसात अशेंय ह्या वेळार कामगारांनी उलोवन दाखयलें.

राय जिल्हो पंचायत वांगडी डॉमनीक गांवकार वतले भाजपांत

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

मडगांव: आम आदमी पक्षाचे थळावे फुडारी आनी राय जिल्हो पंचायतीचे वांगडी डॉमनीक गांवकार हे आम आदमी पक्षाक सोडचीट दिवन भारतीय जनता पक्षांत प्रवेश करतले अशी म्हायती मेळ्ळ्या. फुडल्या सप्तकांत ते भारतीय जनता पक्षांत प्रवेश करतले.

हे विशीं गांवकार हांणी आपली भाजपाच्या फुडाऱ्यां कडेन उलोवणीं जाल्या. आपूण भाजपांत प्रवेश करतलो अशें तांणी सांगलें. तांणी हालींच कुडटरी मतदारसंघातल्यान आम आदमी पक्षाच्या उमेदवारीचेर विधानसभा वेंचणूक लडयिल्ली. त्या वेळार आम आदमी पक्षान आपल्याक कांय आस्वासनां दिल्लीं. पूण ती तांणी उपरांत पाळ्ळी नात. आपणे आम आदमी पक्षाच्या उमेदवारीचेर विधानसभा वेंचणूक लडयली ही व्हड चूक केली. आपलो निर्णय सारको नाशिल्लो. ताचो आपले राजकी कारकिर्दीचेर खूब परिणाम जालो अशें गांवकार हांणी सांगलें.

गोंयांत 2017 ते 15 जून 2022 ह्या काळांत 2018 अपघात

कांय प्रकरणां न्यायप्रविश्ट: गृह मंत्र्यांची लेखी जापेंत म्हायती

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

पणजी : गोंयांत 2017 ते 15 जून 2022 ह्या काळांत 2018 वाहन अपघात घडल्यात. हातूंत जायत्या जाणांक गंभीर दुखापत आनी अपघातांत मरण आयलां. अपघाताक कारण थारिल्ल्या 136 दुबावितांक ख्यास्त जाल्या. जाल्यार 220 अपघातांतल्या दुबावितांची निर्दोश सुटका जाल्या. तशेंच 383 जाणांचे वाहन परवाने निलंबीत करपाक धाडल्यात, अशी म्हायती गृह मंत्री तशेंच मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी लेखी जापेंत दिल्या.

कुडतरीचे आमदार आलेक्स रेजिनाल्ड हांणी हे विशीं विधानसभेंत लेखी प्रस्न दाखल केल्लो. लेखी जापेंत दिल्ले म्हायती प्रमाण, गोंयांत 2017त अपघातांनी 479 जाणांक मरण वा गंभीर दुखापत जावपाचे प्रकार घडल्यात. अपघाताक कारण थारपी 64 जाणांक न्यायालयान ख्यास्त केल्या. जाल्यार 107 जाणांक निर्दोश मुक्त केल्या.

2018 त 439 जाणांक मरण वा गंभीर दुखापतीचे अपघात जाल्यात. अपघाताक कारण थारपी 48 जाणांक न्यायालयान ख्यास्त केल्या. जाल्यार 73 जाणांक निर्दोश मुक्त केल्या. तशेंच 2019 त 376 अपघात जाले. हातूंतल्या अपघाताक कारण थारपी 17 जाणांक न्यायालयान ख्यास्त केल्या, जाल्यार 27 जाणांची निर्दोश सुटका केल्या.

2020त 272 मरण वा गंभीर दुखापतीचे अपघात जाले. अपघाताक कारण थारपी 5 जाणांक न्यायालयान ख्यास्त केल्या. जाल्यार 11 जाणांची निर्दोश सुटका केल्या. तशेंच 2021 त 286 अपघात घडले. हातूंतल्या दोगांक ख्यास्त जाल्यार 32 जाणांची न्यायालयान निर्दोश सुटका केल्या.

अंदूं 15 जून 2022 मेरेन 166 अपघात घडले. हातूंतल्या सगल्या प्रकरणांनी न्यायालयांत वा पुलीस स्टेशनांचेर चवकशी सुरू आशिल्ल्याची म्हायती मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी लेखी जापेंत दिल्या.

2017 ते 15 जून 2022 ह्या काळांत अपघाताक कारण थारिल्ल्या 383 जाणांचे वाहन परवाने निलंबीत करपाक धाडल्यात.

हुंवारा पसून घरांच्या संरक्षणा खातीर बंदाऱ्यांचो प्रस्ताव

कळणें, शापोरा न्हंयांचेर बांदतले बंदारे: सुभाष शिरोडकार

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

पणजी : पावसांत शापोरा आनी कलना न्हंयांक हुंवार येवन साळ तशेंच पेडणें म्हालांतल्या घरांनी उदक घुसतां. ह्या हुंवाराच्या उदका पसून घरांचें संरक्षण करपा खातीर शापोरा आनी कलना ह्या न्हंयांचेर बंदारे बांदपाचो प्रस्ताव आसा. साळ तशेंच बैलपार हांगा हे बंदारे बांदतले, अशी म्हायती उदका पुरवण खात्याचे मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी सभाघरांत दिली.

गोंयांत सध्या उटंगाराचो पावस सुरू आसा. हुंवाराक लागून रस्ते उदकापोंदा वचपा सयत घरांनी उदक घुसपाक लागलां. पावसांत शापोरा न्हंयेक हुंवार आयले उपरांत पेडणें म्हालांतल्या घरांनी उदक घुसतां. सरकार हाचेर कितें उपाय येवजण करतलें? असो प्रस्न पेडणेंचे आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी केलो.

ह्या प्रस्नाचेर सभाघरांत बरोच वेळ भासाभास जाली. हुंवार येवन घरांनी उदक घुसपाचे प्रकार फाटल्या दोन ते तीन वर्सांनी घडटात. पावसाचें प्रमाण वाडल्यार शापोरा न्हंयेक हुंवार येवन उदक घरांनी वता. पेडण्यां सयत साळ गांवातूय उदक भरतां. भरती वेळार तिळारी धरणाचें उदक सोडले उपरांत साळ गांवांत उदक भरता. तिळारी धरणाचें उदक भरती वेळार सोडचें न्हय, अशी विनवणी महाराष्ट्र सरकाराक करतलो, अशें मंत्री शिरोडकार हांणी सांगलें.

साळांत शापोरा न्हंयेचेर बंदारो बांदपाची येवजण आसा. तशेंच बैलपार हांगा दुसरो बंदारो बांदतले. बंदारे बांदले उपरांत साळ तशेंच पेडणें म्हालांत उदक भरचें ना. कलना तशेंच शापोरा न्हंयेक येवपी हुंवाराक लागून साळ तशेंच पेडणें म्हालांत उदक भरता. सरकार प्राधान्यान बंदारे बांदपाचीं कामां सुरू करतलें, अशें आस्वासन उदका पुरवण खात्याचे मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी दिलें.

ह्या प्रस्नाचेर सभाघरांत जाल्ले चर्चेत आमदार डॉ. चंद्रकांत शेटये, आमदार विजय सरदेसाय हांणी वांटो घेतलो.

संवसारीक बँकेच्या अर्थीक मजतीन 12 म्हालांनी निवारा घरां बांदपाचो प्रस्ताव आसा. हुंवारांत जे लोक सांपडटात तांचें स्थलांतर ह्या निवारा घरांनी करप शक्य जातले, अशी म्हायती मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली.

घराचेर पडिल्लें झाड.

केरी घराचेर झाड पडून लुकसाण

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

वाळपय: सत्तरी म्हालांतल्या केरी पंचायत वाठारांतल्या घोटेली नंबर दोन हांगा राजेश बार्रा कुशीक आशिल्ल्या घराचेर पणसाचें झाड पडिल्ल्यान व्हड लुकसाण जावन, दुरगाचेंय लुकसाण जालां. उजो पालोवपी दळाच्या जवानांनी ताकतिकेन धांव घेवन हजारांनी रुपयांची मालमत्ता वाटावपाक येस मेळयलें.

ही घडणूक दनपारां 12 वरांच्या सुमाराक घडली. केरी पंचायत शेतांतल्या घोटेली हांगासरल्या राजेश बार्रा कुशीक आशिल्ल्या घराचेर पणसाचें झाड पडलें. हाका लागून घराच्या एका दर्शनी भागाचें लुकसाण जालें. तेच प्रमाण हें झाड घराच्या दुरगार पडिल्ल्यान दुरगाचेंय लुकसाण जालें. हे विशींची खबर वाळपयच्या उजो पालोवपी दळाक मेळटकूच तांणी रोखडीच धांव घेवन घराचेर पडिल्लें झाड कुशीक काडलें.

अतिक्रमणांक लागून सांता क्रुझ बोंडवेल तळ्याचो धोको वाडलो

पळोवणी करून उपाय येवजण करपाचें मंत्र्याचें आस्वासन

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

पणजी : सांता क्रुझ तळ्या कुशीक अतिक्रमणा जाल्ल्यान ह्या तळ्याक धोको निर्माण जाला. तळ्यांतल्यान भायर वचपी उदक बंद करपा खातीर उपाय येवजण करपाची मागणी आमदार रुडॉल्फ फर्नांडीस हांणी केली. तळ्याची अधिकार्यां सयत पळोवणी करून निर्णय घेवपाचें आस्वासन उदका पुरवण खात्याचे मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी दिलें.

सांताक्रूज मतदारसंघांतल्या बोंडवेल तळ्यांतल्यान व्हांवपी उदक बंद करपा खातीर उपाय येवजण करपाची मागणी आमदार रुडॉल्फ फर्नांडीस हांणी केली. बोंडवेल तळ्याकुशीच्या एका मुंडकारान न्यायालयान याचिका दाखल करून जमनीचेर दावो केला. हाका लागून बंदार्याचें काम सुरू करपाक आडखळ येता. न्यायालयांत प्रस्न सुटावो जाले उपरांत बंदार्याचें काम सुरू करपाक मेळटलें. अधिकार्यांक घेवन बोंडवेल तळ्याची आपूण पळोवणी करतलो. थंयची स्थिती जाणून घेवन उपाय येवजण करपाचो निर्णय घेवप शक्य जातले, अशें मंत्री शिरोडकार हांणी सांगलें.

सध्या तळ्याची राखणे वणत मोडल्यार धोक्याची स्थिती निर्माण जातली. तळ्या कुशीक जी झाडां आसली थंय फातोर हाडून उडल्यात. एका मुंडकाराक लागून शेकड्यांनी लोकांक त्रासांत घालप अयोग्य आसा, अशें रुडॉल्फ फर्नांडीस हांणी सांगलें.

2017 ते 15 जून 2022 मेरेन गोंयांत 174 खून

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

पणजी: गोंयांत 2017 ते 15 जून 2022 मेरेनच्या काळांत 174 खून जाले. हाचे बगर गोंयांत 151 जिवघेणो हल्लो प्रकरणांत गुन्यांव दाखल केल्ल्याची म्हायती मुख्यमंत्री तशेंच गृह मंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी लेखी जापेंत दिली.

मडगांवचे आमदार दिगंबर कामत हांणी हे विशीं विधानसभेंत लेखी अतारांकीत प्रस्न दाखल केल्लो.

लेखी जापेंत दिल्ले म्हायती प्रमाण गोंयांत 2017 वर्सा 31, 2018 वर्सा 29, 2019 वर्सा 33, 2020 वर्सा 34, 2021 वर्सा 26 जाल्यार 15 जून 2022 मेरेन 21 मेळून 174 खून जाले.

हाचे बगर 2017 वर्सा 26, 2018 वर्सा 28, 2019 वर्सा 34, 2020 वर्सा 25, 2021 वर्सा 30 जाल्यार 15 जून 2022 मेरेन 8 मेळून 151 जिवघेणो हल्लो जाल्ल्याची म्हायती गृह मंत्री डॉ. सावंत हांणी लेखी जापेंत दिली.

भासाभास जाता, पूण समस्या सुटनात

विधानसभा अधिवेशना वेळार उदरगतीचीं कामां, राज्य चलयतना सरकाराक येवपी खर्च, आडमेळीं, जाल्ले गैरप्रकार.... सगलें सगलें उक्ताडार येतात. मात सगलेंच जाग्यार पडना, भासाभासा जाता, पूण समस्या सुटना, अशें लोक म्हणटात. कारण गैरप्रकार, भ्रश्टाचार हे सतत चलतात. संबंदीतांचेर कारवाय जाताच अशें ना. कांय वेळार कितें घडलां, तें उक्ताडारूयर येना. विरोधक पसून ताचे आड आवाज काडिनात. लोकूय विधानसभेचें प्रक्षेपण पळयतात. तिडकीन पेट्टात..... मागीर सोशल मिडियाचेर कडक कमेंट घालून शांत जातात.

नगरनियोजन मंत्र्यांच्या अहवाला प्रमाण, मायकल लोबो आनी तांच्या घरच्यांनी 27 हजार 647 चौखण मिटर जमनीचें रुपांतर केलां. कळंगूट- कांदोळी, पर्रा - नागवें- हडफडें ओडीपींत हो प्रकार जाला. 50 टक्के रुपांतरीत जमनींचो दर्जो आदले सारको केला. बेकायदेशीर विकिल्ल्यो जमनीं जप्त करतले, मूळ धनयांक दितले, अशेंय जाहीर जालां. आता हाचे मुखार जमनींचे बाबतींत हातचलाखी जावची ना, हे खातीर सरकाराक जतनाय घेवची पडटली. ओडीपींनी हातचलाखी जाली, जमनी बेकायदेशीर पद्दतीन घेवन विकपाचेय प्रकार जाले, ताचे कोण मुखेल सुत्रधार आसात, जाल्यार तांकां ख्यास्त जातली? कोमुनिदादी सारक्या संस्थांच्यो 25 वर्सां पयलीं कितल्यो जमनीं आशिल्ल्यो आनी सध्या कितल्यो उरल्यात, ताचोय नियाळ घेतल्यार गोंय कशें मुदार जालां, तें सगल्यांक कळटलें. जमनींचीं रुपांतरां जाल्यांत तीं फक्त बार्देशांतूच, काय हेर तालुक्यांनीय? ताचोय सोद घेतल्यार बरो.

ऑगस्टांत पंचायत वेंचणुको जातल्यो. आतां हेर मागास लोकांक (ओबीसी) आरक्षण मेळटलें. ओबीसींतल्या 19 घटकांक. ताची वळेरी जाहीर केल्या. तळागाळांतल्या लोकांचे कितें प्रस्न आसात, ताचे वयले उपाय तांकांच खबर आसतात. म्हणटकच चडांत चड ओबीसी उमेदवार पंचायत वांगडी जाल्यार तांच्या वाठारांच्या उदरगतीक वेग येतलो, अशें धरून चलुया. मात बऱ्याच पंचायतींक उदरगतीच्या कामाचेर पयसो कसो खर्च करपाचो, तो कसो उबो करपाचो हाची खबर ना. खुद्द मुख्यमंत्र्यांनी ते विशीं खेद उक्तायलो. पंचायतींक वित्त आयोगाचो निधी येता. मात ताचो वापर जायना. पंचायती सगल्या कामां खातीर सरकाराचे तिजोरेचेर अवलंबून रावतात. हातूंत अनुदानाचेर चलपी म्हामंडळांय आसात, अशें तांणी सांगलें. पयसो कसो उबो करप, तो खर्च कसो करप, कामां कशीं करप, हाचें प्रशिक्षण दिवपाचो विचार मुखार आयला. तो चालीक लागचो.

लोकांच्या घामा, कश्टांचो पयसो मोडटना धा फावटीं विचार करप गरजेचें, हें लोकप्रतिनिधींक खबरूच आसतलें? आमच्या गोंयचेर सध्या 23 हजार 270 कोटींचें रीण आसा, हेंय विसरून चलचेंना.

कारण कांय वेळार चार आण्याची कोंबी आनी बारा आण्याचो मसालो, असलो प्रकार बऱ्याच कामां बाबतींत जाता. लोकांच्या घामा, कश्टांचो पयसो मोडटना धा फावटीं विचार करप गरजेचें, हें लोकप्रतिनिधींक खबरूच आसतलें? आमच्या गोंयांचेर सध्या 23 हजार 270 कोटींचें रीण आसा, हेंय विसरून चलचेंना.

सरकारान जिणेगरजेच्या रस्त्यांचो प्रस्न गंभीरपणान हाताळपाचें थारायलांशें दिसता. गोंयची ट्रॅफिक, करुया टेरिफीक, अशें कांय जाण म्हणटात. रस्ते सुधारले बगर हें शक्य ना. ताळगांवांच्या रस्त्याची दुर्दशा करपी कॉण्ट्रेक्टराचो परवानो दोन वर्सां खातीर रद्द केला. हाचे मुखार रस्तो पिड्ड्यार जालो जाल्यार संबंदीत कॉण्ट्रेक्टराच्या खर्चान तो परतून दुरूस्त करून घेतले, अशें सरकारान जाहीर केलां. तें प्रत्यक्षांत जावचें. स्वता बांदकाम खात्याक कामगार वापरून रस्त्यांक डांबर घालप शक्य ना? पालिका स्वता कोयर उखलता, तशें. गोंयांत सगळ्याक एकसारकोच पावस पडटा. मात कांय थारावीक रस्ते गुळगुळीत उरतात, उरिल्ले पयले दडकेन काबार जातात, हाचे फाटलें रहस्य सगल्यांक खबर आसा. पूण गोंय मुक्त जायत सावन आयज मेरेन ताचेर कांय जावंक ना. उदरगतीचीं कामां करतना तीं किमान 15 वर्सां तरी तिगपाक नाका?

हुंवाराचे समस्येचेर नियंत्रण दवरपाक साळांत आनी कळणा न्हंयेचेर बांद बांदून उदक आडयतले, अशें उदकास्रोत मंत्र्यान सांगलां. मात हें काम बारीक विचार करून जावंक जाय. पोरूं सत्तरींत हुंवार आयिल्लो तेन्ना बांदांक लागून तो आयलो, असो दावो थळाव्या लोकांनी केल्लो. तशें हांगा जावचें न्हय. आदेस भर पावसाची दडक पडल्यार हालींच्या वर्सांनी सगलेच कडेन उदक रस्त्यार येता. हुंवार येवपा फाटलीं कारणां सोदून उपाय घेतल्यार ही समस्या सुटूं येता.

हांतरी

ज्ञानाची ज्योत दाखोवपी गुरू

भारतीय सौर वर्सा प्रमाण आषाढ म्हयन्यांतल्या पुनवेक गुरुपुनव म्हणटात. आई माझा गुरू आई कल्पतरू, सौख्याचा सागरू आई माझी, अशें म्हणटात. दरेकाची आई हीच पयली गुरु. कुटुंबाची पोटाची खळगी भरपाक बापूय चड करून घरा भायर आसतात, त्या वेळार आवय वांगडा भुरग्यांचो चडसो वेळ वता. म्हणून आवय आराध्य देवते सारकेंच स्थान आसा.

दुसरे गुरू म्हणजे शाळेंतले गुरुजन. भारतीय संस्कृतायेंत गुरू ह्या उतराक व्हडलो मान आसा. आमकां शिक्षीत करता तो गुरू. जो अज्ञान ना करता तो गुरू. गुरू हो सुर्यमाळेंतलो सगल्यां व्हडलो गिरो. संगीत, अध्यात्म, शिक्षण, विज्ञान अशा सगल्या मळांचेर गुरू ही संकल्पना दृढ जाल्या.

गुरुपौर्णिमा हो दीस बालवाडी, शाळा, म्हाविद्यालयांनी व्हड प्रमाणात मनयतात. ते दीस आपल्या गुरुजना मुखार नतमस्तक जावन ताका वंदन करतात. ताची पूजा करतात. ताका गुलाबाचें फूल दिवन ताचो मान, सन्मान करतात.

गुरुर्ब्रह्मा गुरुर्विष्णुः गुरुर्देवो महेश्वरः,
गुरुः साक्षात् परब्रह्म तस्मै श्री गुरवे नमः॥

गुरूक परब्रह्म म्हणटात. गुरू म्हणजे यथार्थ ज्ञानाचो म्हासागर. गुरू आमकां काळखांतल्यान उजवाडा कडेन व्हरता. प्रकाशाची वाट दाखवयता. अशे गुरू देवा परस खूब श्रेश्ठ आसतात. गुरू म्हणजे सत्य, शिवं, सुंदरतेची आराधना. भक्तीभावना. पिळग्यान पिळग्यो समाजांत गुरूचें स्थान सर्वोच्च आसा. गुरुच्या अर्थपूर्ण शिकवणीन शुन्यांतल्यान विश्व निर्माण करपाची प्रेरणा जण एका विद्यार्थ्याक मेळटा. अज्ञानरुपी अहंकार, मद ना करूंक , शिश्याच्या जिवितांत ज्ञानाची ज्योत पेटोवपाचें म्हान कार्य गुरू करतात. हातूंत म्हाका तरी मात्तूय दुबाव ना.

आमकां ज्ञान, सुखी जिवनाची वाट दाखोवपी, काळोख ना करून उजवाड दाखोवपी गुरूक कोटी कोटी प्रमाण.

सिद्धी तिळवे
9158200956

केन्ना मोडटले आमी ह्यो फास्क्यो?

होमखण

धनंजय चौहान आनी म्हजी पयली वळख 2019 वर्सा जाली. भोपाळ जाल्ल्या 'विश्वरंग' टागोर आंतरराष्ट्रीय साहित्य आनी कला महोत्सवांत ताका आयकुपाची संद म्हाका लाभली. ह्या महोत्सवांतली कांय सत्रां खास एल. जी. बी. टी. विशयांचेर आशिल्लीं आनी साहजीक हेरां वांगडाच म्हाकाय ताचे विचार, साहित्य जाणा जावन घेवपाचें कुतूहल आशिल्लें. ह्या सत्राच्या सुरवातीक हेरांनी आपल्यो व्यथा, काणयो मांडल्यो. तांची तिडक, घुसमट, स्पश्ट दिसताली आनी ते तांच्या उलोवपांतल्यान व्यक्तय जालें. धनंजय उलोवपाक उठले तेन्ना तांच्या मुखामळार एक मंद हांसो आनी शांतताय आशिल्ली. तांणी तितलेच शांततायेन आपली काणी लोकां मुखार व्यक्त केली. तातूंतलो संघर्श, दुख्ख, शोंशण स्पश्ट दिसतालें मात तेच वांगडा स्वताच कडेन शांततायेचो कबलात केल्ले धनंजयाच्या मनांतलो निश्चेव आनी जिद्द शब्दा कणकणी जाणवताली. आपल्या सारक्या कितलेशेच जाणांचो मार्ग सुखकर करपाच्या वावराक लागिल्लें धनंजय ते दिसा म्हज्या काळजांत घर करून गेलें.

सत्र सोंपून हांवें धनंजयाक गांठलें, ताचें कवतुक केलें. आनी मागीर म्हाका आमी एकाच हॉटेलांत रावल्यांत म्हणपाचें समजलें. रातची आमी जेवणा वेळार मेळ्ळी आनी ते उपरांत म्हजे मुखार उक्तें जालें ते एक वेगळेंच जग, एक वेगळोच प्रवास. आपूण दादल्याच्या शरिरांत जल्मलें तरीय आपल्यो भावना आनी जाणविकायो बायलेच्यो हे समजले उपरांत ल्हान आसतनाच्यान ताचे नशीबाक आयलो तो फकत तिरस्कार आनी घुस्मट. पयलीं पालकांनी न्हयकारलें, उपरांत इश्टांनी आनी स्वताक सिद्द करपाच्या ह्या धडपडींत ते शिकतालें त्या नामनेच्या शिक्षण संस्थेत लेगीत ताच्या नशीबांत आयले ते हाल, लैगींक अत्याचार, बलात्कार, चोरीचो आळ आनी कितलीशींच वर्सां बंदखणींत रावन थंयूय शोंशण. ह्या सगळ्या उपरांत लेगीत स्वताक खचपाक दिनासतना धनंजय आपल्या पांयार उबें रावले. ज्या शिक्षणीक संस्थेन ताका एका वेळार हिणसायल्लें, ताका नानपयत करपाचो यत्न केल्लो त्याच संस्थेन आयज ते भितर सरतकर सगळे उबे रावन ताका रेस्पेद दितात. एल.जी.बी.टीक योग्य न्याय आनी मान दिवपाच्या वाटेर धनंजयाचे यत्न आयज थंय स्पश्ट दिश्टी पडटात. आनी धनंजयाच्या तोंडार दिसता समाधानाचो हांसो.

हालींच शिमला जाल्ल्या 'उन्मेष', आंतरराष्ट्रीय साहित्य महोत्सवांत धनंजयाची परत भेट जाली. शिमला वतना हांवे ताचे खातीर एक ल्हानशी भेट व्हेल्ली. गोंयात पावता म्हणल्यार ताची वॉयस मेसेज. मेसेजीत हेर सगळें, पूण म्हज्या मनाक भिडलें तें ताचे एक वाक्य जंय ते म्हणटा, "आपने जो प्यार और सन्मान दिया वो मेरे लिए काफी है।"

धनंजय आनी ताचे सारकिल्ल्याच्या कितल्याश्याच जाणांच्या वांट्याक हो तांच्या हक्काचो मोग आनी मान कित्याक येना काय? कित्याक आमी इतली बोथट जाल्यात की एका हाडामांसाच्या मनश्याक आनी मनीस लेगीत लेखपाक फाटी पडटात? आमच्यो संवेदना इतल्यो सकयल्ल्या थरार पावल्यात की तथाकथीत समाजाच्या फास्के भायर आमी आमचें पावलूच घालूंक पावनात? आनी जे सैमीक आसा, जे घडयें आमकां खबर नाशिल्लें, जे आमकां समजनाशिल्लें ते विज्ञान आडून आडून सांगले उपरांत लेगीत आमकां पटना?

धनंजय आनी ताचे सारकिल्ल्याच्या कितल्याश्याच जाणांच्या वांट्याक हो तांच्या हक्काचो मोग आनी मान कित्याक येना काय? कित्याक आमी इतली बोथर जाल्यात की एका हाडामांसाच्या मनश्याक आनी मनीस लेगीत लेखपाक फाटी पडटात?

दादलो आनी बायल ह्या दोन लिंगा भायर लेगीत हेर लिंगीक समजिकायो आसात, मनशाच्यो वेगवेगळ्यो लैंगीकता आसात हे समजूंक आमी दिसान दीस कमी पडटात. आनी कमी पडटात ते हेरांचे बाबतींत न्हय जाल्यार स्वताच्याच मनश्यां बाबतीन हाचें चड दुख्ख जाता. एल.जी.बी.टी ह्या उतरां कडेन लेगीत तिरस्कारान पळोवपी लोक आसात आनी ताकाच लागून स्वताच्याच घरांनी कितलीशींच जाण स्वताची वळख, स्वताचें अस्तित्व लिपोवन जगतात.

हालींच मानसोपचार तज्ञ डॉ. भुशण शुक्ला आनी एल.जी.बी.टी.क्यु हक्कां खातीर वावुरपी बिंदुमाधव खिरे हांणी बरयल्लें पुस्तक वाचनांत आयलें. 'बेजिक्स ऑफ सॅक्स, जेंडर अँड सेक्श्युआलिटी' ह्या माथाळ्याचें हें पुस्तक खास करून एल.जी.बी.टी.क्यु वांगडा काम करपी, पालक आनी समुपदेशकांक आदार करपाक तयार केला. मात म्हज्या मतान हें पुस्तक दर एकट्यान वाचपाक जाय. ह्या पुस्तकांत केस स्टोरीज आनी कांय जाणांच्यो खाजगी जिणेच्यो काणयो आसात.

पालक आनी समुपदेशक हांच्या संवादातल्यान हे पुस्तक मुखार वता. कशे तरेन पालकांक वा सरभोंवतणच्या लोकांक एका भुरग्याक तो आसा तसो स्विकारपाक त्रास जाता हें पुस्तक वाचतना समजता. आपलो भुरगो हेरां बशेन वागना जातकर पालकांचो जाल्लो घुस्मटमार, तिडक आनी तातूंतल्यान आपल्या भुरग्याक तथाकथीत 'बरें' करपाची धडपड ह्यो गजाली ह्या पुस्तकांत खूब सहज तरेन आयल्यात. लैंगिकतेचो वास लेगीत लागूंक नाशिल्ल्या सान पिरायेच्या भुरग्यांक आमी स्वताच्या फास्कैंत बांदपाक कशे तरेन धडपडटात आनी तातूंतल्यान ताचेर कितें परिणाम जाता ह्यो गजाली लेखकांनी खूब नाजुकपणान हाताळ्ळ्यात. आमच्या भोंवतणी आशिल्ल्या कितल्याश्याच अस्वस्थ मनांक हें पुस्तक थाकाय दिवंक शकता. आमच्या मदले गैरसमज पयस करपाक शकता.

आयज मेरेन कितलेशेच एल.जी.बी.टी.क्यु व्यक्तिंनी, जोडप्यांनी आत्महत्ते सारकेल्लो तोंकाचो पर्याय पत्करला. हाका कारण आमीच न्हय?

हालींच धनंजय आनी ताच्या जिणे सांगात्याक एका जाण्ट्या शिख जोडप्यान पोसके घेतलां. ती तांचे वांगडा रावतात. एक सर्वसादारण जीण जगता आसतनाच धनंजय आपली वाट विसरूंक ना. आपल्या सारकेल्ल्या कितलेशेच जाणांची जीण सुखदायी करपा खातीर तें आपलें काम करत आसा. कितल्याश्याच सामाजीक संस्थांचे ते आदर आनी आदार स्थान जालां. आमच्या मर्दीय कितलिशींच धनंजय आसात. पूण तांकां समजून घेवपी त्या शिख जोडप्या सारकींय कोण नात आनी तांची स्वताची घरची आनी भोंवतणची तर नाच. सर्वसादारण सपनां पळोवपी, ह्या समाजांत आपलीय वळख करपाक सोदपी ह्या येद्या व्हडल्या घटकाक आमी फकत आमच्या फास्कैंत बसना म्हणून कुशीक उडयतात. केन्ना मोडटली आमी ह्यो फास्क्यो?

अन्वेषा सिंगबाळ
9923442746

सालांत

झाडां - पेडांची व्हडविकाय

एकदां श्रीकृष्ण आपणाल्या सवंगड्यां सांगातान वृन्दावनांत भोंवतालो. तो दीस रखरखीत वताचो आसलो. देखून ते सगले दनपरां एका व्हडल्या रुखा तळा सांवळेक बसले. तेदवेळा कृष्ण म्हणूंक लागलो, 'पळयात हीं झाडां कितलीं नशिबवान तीं. तांची पुराय जीण हेरांच्या कल्याणा पासत आसता. तीं आपूण खासा वादळ, वारो, पावस, थंडी, गरमी बी सोंसतात आनी आमकां त्या सैमीक अरिश्टां पसून वाटायतात. खऱ्यांनीच झाड म्हूण जल्माक येवप ही एक व्हड भाग्याची गजाल. कारण तीं समस्त जीवजातीक जीवन दान करतात.'

मुखार ताणें समजायलें की कोणूय बी झाडां- पेडां आनी वार्लीं सरीं वेता तो केन्नाच रित्या हातांनी परतना. ताका कितें ना कितें तरी मेळटाच. पुरो जाल्लो मनीस रुखाचे सांवळेंत विसव घेता. झाडां आपणाली फुलां आनी पानां सोबीतकाय आनी आरास हांचे पासत दितात.... आनी तांचीं फळां आमची भूक भागयता. झाडांचे दीख आनी रोस हे लेगीत उपेगी आसात. झाडां आपणालीं लाकडां बांदकामां खातीर आनी जळोव म्हूण आमकां दितात. भोजपत्र झाडाचीं पानां बरोवपा खातीर वापरतात.

झाड फक्त मनशाचीच सेवा करीना. तें सगल्यांक आलाशिरो दिता. देखीक सुकण्यां- शेंवण्यांक, चानयांक, वानरांक, हरणां, गव्यांक बी. तांची ही सेवा चालूच आसता. मागीर तांकां फळां लागतात. पूण झाड आपणाल्या फळांचो त्याग करता. खंयचेंच झाड आपूण खासा फळां खायना ! पुराय फळां तें दान करता. खरें म्हणचें झाड हें व्हडांतलें व्हड कर्मयोगी आसा.

राजा रणजित सिंग हांचे विशीं एक आख्यायिका आसा. एकदां खंय राया रानांत भोंवडेक गेल्ले कडेन एका आंब्याच्या रुखा मुळांत बसलेलो. कोणे तरी पयसुल्ल्यान रुखा वशीन एक फांतर मोखून मारलो. पूण, ताचो तीर चुकलो. गुंडो फळार बसलो ना. उरफाटो तो राजाच्या मुकटार येवन पडलो. रक्षकांनी धावून वचून त्या गुन्यांवकाराक धरलो आनी ताका राजा मुखार उबो केलो. भंयान तो मनीस कडकडटालो. कांपऱ्या उतरांनी ताणें राजाक सांगलें की ताणें तें कर्तुब बळयां करूंक नासले म्हूण.

आपणा कडेन जे तरेकवार सद्गुण आसात तांचो उपेग करून समाजाच्या कल्याणा पासत वावरप म्हळ्यारुच जिवितांत येश प्राप्त करप, होच खरेलो धर्म.

शाण्या- सुरत्या राया रणजित सिंगान त्या मनशाक इनामां दिलीं आनी ताची सुटका केली. हें पळोवन रक्षकांक भोव अजाप जालें. तेदवेळा राजान तांकां समजावन सांगलें. म्हणूक लागलो, 'तो फातर जर नीट झाडाचेर बसलेलो जाल्यार झाड ताका फळ दितलें आसलें. हय काय न्हय? त्यान भायर म्हजेर फातर मारपाचो ताचो हेत नासलो. ती गजाल चुकून घडली. म्हण्टकूच त्या झाडा परस म्हजी करणी उणाक कित्याक जावची? तें झाड जर आपणाक दुखले उपरांत लेगीत फळ दिता तर मागीर हांव मनीस आसून लेगीत हांवें तशें कित्याक करचें न्हय?'

झाडाची व्हडविकाय गावपी एक संस्कृत श्लोक आसा. ताचो अर्थ असो, एक कोंड म्हळ्यार धा बांयां समान. एक तळें म्हळ्यार धा कोंडां समान. एक पूत म्हळ्यार धा तळयां समान आनी एक झाड म्हणल्यार धा पुतां समान! कृष्णान समेस्तांक झाडां- पेडां आनी गोरवां- वासरां हांच्या योगदानाची जाणविकाय करून दिली. ताणें गोवर्धन पर्वताची राखण केली आनी यमुना न्हंय नितळ केली. आयज भोंवतण आनी पर्यावरणाचे प्रदुशण हांच्या संबंदान जायत्यो भासाभासो जाल्ल्यो दिश्टी पडटात. पूण कृष्णान ताचे साकारप प्रत्यक्ष आपणाल्या कर्तुबांनी सिद्ध करून दाखयलां.

कृष्ण आपणाल्या इश्टां, वांगडा भोंवडी करतना सहज म्हूण लाभिल्लें हें गिन्यान एक म्हत्वाचो संदेश दिता : मनशान आपली जीण, आस्पत, बुद्द, वाणी आनी करणी हांचे वरवीं हेरांचें बरें करपाक एक सारको वावरप हातूंनूच ताच्या जल्माचें सार्थक आसा.

आपणालें जिवीत खऱ्या अर्थान जैतिवंत कशें करप ह्या संबंदान देव आमकां मार्गदर्शन करता. आपणा कडेन जे तरेकवार सद्गुण आसात तांचो उपेग करून समाजाच्या कल्याणा पासत वावरप म्हळ्यारुच जिवितांत येश प्राप्त करप, होच खरेलो धर्म. श्रीकृष्णान आपणाल्या पुराय जिवितांत खासा ह्याच धर्माचें आचरण केलां.

(मूळ लेखक : स्वामी तेजोमयानंद)

प्रदीप लवंदे
9923292022

म्होंवाचें बोट

बायलेचें अस्तित्व

चली जाल्यार जिलेबी, चलो जाल्यार पेडे. चलो घरचो दिवो आनी चली दुसऱ्या घरा दिवपाची. तिका बरें शिकोवन आमकां कितें मेळपाचें, चल्याक शिकयल्यार तो फाल्यां आमकां पोसतलो. असो समज घेवन चलपी समाज आजूय पळोवंक मेळटा. चली, ती ना आवय घरची उरता, ना घोवा घरची, ती मदले मर्दी हुमकळत उरता. पयलीं आवय बापायचो हक्क आनी उपरांत घोवाचो. मागीर ते चलयेन जगप केन्ना? हो प्रश्न म्हाका सदांच सतायता आनी जायत्या चलयांकूय सतायता आसतलो. एकाद्री चली २० वर्सांची जाली म्हणटकीच समाजाच्या तकलेर मणभराचें वजें. आरे! पापया चली व्हड जाल्या. आनीक कितलो शिकयतलो ताका, खंयूय जाती भितर लग्न जुळोवन माळ घालून सोड ताका. संवसार करतलें, ना जाल्यार कोणा फाटल्यान पळून गेल्यार तुमचें नांव पाड करतलें. समाजांत आजूनय असोच समज आसा, चलयेंक कोणा कडेनूय जाती भितर लग्न करून दिलें म्हणटकीच जालें. मागीर घोव बेबदो आसूं वा शिकिल्लो नासूं वा मांय गाळी मारता, सतायता जांव, पूण एकदां चलयेचें लग्न कर. कुटूंबाचे नांव राखचें म्हणून. पूण ताच्या फुडाराचें कितें? ताका आवडट्या गोश्टी पसून, ताच्या मनशा कडल्यान, शिक्षणां कडल्यान पयसावतात. तें मन मारून लग्न जाता आनी नव्या वातावरणांत भितर सरता, जाका तें तयार लेगीत आसना, तरी लेगीत तें त्या वातावरणांत रूळपाचो यत्न करता, पूण जितलें तें रूळटा तितलेंच दुसऱ्या गोश्टी कडल्यान पयसावता आनी पुराय आयुश्यभर अशेंच घडटा. लग्न जातकच खूबशीं नातींय वाडटात. ती चली घोवाची बायल जाता, कोणाची सून, जाव ,नणंद, काकी, मामी जाल्यार कोणाची भाभी जाता. हीं सगळीं नातीं सांबाळटा सांबाळटनाच ताची गर्भकुड फळटा आनी कांय म्हयन्यांनी भुरगीं जातकूच ताका आनीक एका नात्याची वळख जाता. आवयपण... आनी ह्या सगल्या जापसालदारकीं मर्दी चली मदल्या मर्दी हुमकळत उरता. आपलें अस्तित्व त्या चार वणटींच्या मर्दी सांडोवन बसता आनी कांय वर्सांनीं नकळटां आपणाकूच विसरून वता.

लक्षता मातोंणकार
8698687306

■ **मुद्रक आनी प्रकाशक प्रमोद आचार्य** हांणी प्रुडंट मिडिया (गोवा) प्रा.लि. गोंय हांचे वतीन हें पत्र एलेगंट ऑफसेट प्रिंटर्स प्रा. लिमिटेड, प्लॉट नं. **2-3-4**, थिवी इंडस्ट्रीयल इस्टेट करासवाडो, म्हापशें-गोंय हे सुवातेर **छापून** दुसरो माळो, फोर्थ इस्टेट (कामत मॅट्रोपोलीस) सांत इनेज, पणजी-गोंय हांगां **प्रकाशीत** केलें.

■ **संपादक: महेश महादेव दिवेकार** (पीआरबी कायद्या खाला संपादकी जबाबदारी)
■ **पणजी कचेरी:** दुसरो माळो, फोर्थ इस्टेट (कामत मॅट्रोपोलीस) सांत इनेज, पणजी-गोंय हे सुवातेर उजवाडायलें. फोन नं. **2405952**.

■ **ई-मेल: bhaangarbhuin@gmail.com** (बातम्या खातीर) **bhaangarbhuineditorial@gmail.com /** (लेख आनी साहित्या खातीर) **/ bhaangarbhuinadvt@gmail.com** (जायरातीं खातीर). ■ **सुचोवणी :** अंकात व्यक्त जावपी मतां कडेन संपादक-प्रकाशक-मालक सहमत आसतलेच अशें ना. मजकुराची जापसालदारकी बरोवपी- जायरातदार हांची आसतली.

वाचन संस्कृती मुळा सावन रुजपाक जाय

सुलक्षा कोळमुळे : सांखळी नगर वाचनालयाचो सुवाळो उमेदीन

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

केरी-सत्तरी: वाचन संस्कृती मुळा पसूनच रुजपाक जाय. भुरगेपणारूच वाचपाची आवड निर्माण करप गरजेचें. हातूंत आवय बापाय वांगडा शिक्षकांचेंय काम म्हत्वाचें, अशें पणजी ग्रंथालयाची इन्चार्ज क्युरेटर सुलक्षा कोळमुळे हांणी सांगलें.

सांखळे रवींद्र भवनाच्या प्राकारांत आशिल्ल्या सांखळे नगर वाचनालयाचो वर्सपुर्ती सुवाळो हालींच जालो. ह्या वेळार कोळमुळे मुखेल सोयरी म्हणून उलयताली. नेमान येवपी वाचकांचो ह्या वेळार भोवमान जालो. तशेंच वाचनालयाची वळख जावचे खातीर ह्या वाठारांतल्या विद्यालयांतले शिक्षक, विद्यार्थी आनी ग्रंथपालांक आमंत्रीत करून वाचनालयाची म्हायती दिली.

माचयेर रवींद्र भवन सांखळीचे उपाध्यक्ष विठोबा घाडी, निवृत्त शिक्षिका तशेंच सांखळे नगरपालिकेची नगरसेविका शुभदा सावयकार, निवृत्त उपमुख्याध्यापक राज्य पुरस्कार मानेली शिक्षक गजानन शेट्ये, सरकारी तालुका वाचनालय वाळपयची मुखेली दीप्ती सावंत, सरकारी नगर वाचनालय सांखळेचे ग्रंथपाल ब्रिजेश चणेकार हाजीर आशिल्ले.

सांखळे नगर वाचनालया वतीन विद्यालयांच्या प्रतिनिधींक वाचनालयाचें म्हायती पुस्तक दितना विठोबा घाडी. कुशीक इन्चार्ज क्युरेटर सुलक्षा कोळमुळे, शुभदा सावयकार, गजानन शेट्ये, दीप्ती सावंत, ब्रिजेश चणेकार. (राघोबा पेडणेंकार)

सुरवातेक दिवली पेटोवन कार्यावळ सुरू जाली. ह्या वेळार साईशा डांगी, बाळासाहेब आल्तेकार, गजानन कर्पे, पांडुरंग देसाय, नंदू सोहनी ह्या ग्रंथालयांत नेमान येवपी वाचकांचो भोवमान केलो.

गजानन शेट्ये हांणी, केपें, कुंकळ्यां आनी सांखळे हांगा नगर वाचनालयां आसात. आमी सांखळेकार भाग्यवान. हें गोंयचें तिसरें नगर वाचनालय. वाचनालय सुरु केलें तेन्ना वाचनालयांत 11510 पुस्तकां आशिल्लीं आनी आतां एका वर्सान 13133 पुस्तकां जालीं. विद्यालयाच्या शिक्षक, ग्रंथपालांनी विद्यार्थ्यांमदीं आवड कशी निर्माण जातली हाचे कडेन लक्ष दिवचें. विद्यार्थ्यांनी वांगडीय जावं येता, अशें तांणी सांगलें.

शुभदा सावयकार हांणी ह्या वेळार आपले विचार मांडले.

हे कार्यावळीक 18 विद्यालयांचे शिक्षक, क्लार्क, ग्रंथपाल हाजीर आशिल्ले.

ह्या वेळार सरकारी माध्यमीक विद्यालय पिसुर्ले सत्तरीचे बारा विद्यार्थी वाचनालयाचे वांगडी जाले. जाल्यार हाजीर आशिल्ल्या विद्यालयाच्या प्रतिनिधींकडेन वाचनालयाचीं म्हायती आशिल्लीं पुस्तकां तशेंच वाचनालयाचो लाव घेवपाचें आवाहन पत्र भेटयलें.

ह्या ग्रंथालयाची वेळ सोमार ते शुक्रार सकाळीं 9 ते सांजचीं 6.30 आनी शेनवार आनी आयतार सकाळीं 9.30 ते सांजचीं 5.45 मेरेन आसतली. सुटी आसल्यारूच ग्रंथालय बंद आसतलें, अशें ग्रंथपाल ब्रिजेश चणेकार हांणी सांगलें.

कार्यावळीचें सुत्रसंचालन प्रताप उगवेंकार आनी ब्रिजेश चणेकार हांणी उपकार मानले.

तिवरेंचो चिखलकालो मनयतना भावीक.

महारूद्र देवळा वतीन आयज गुरू पुनव

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

म्हापशें : म्हापशेंच्या महारूद्र संस्थाना वतीन गुरु पुनवे निमतान फाल्यां, ता. 14 जुलयाक सांजच्या 5 वरांचेर 'संगीत संध्या' ही भावगीत, नाट्यगीत आनी अभंग संगीताची कार्यावळ आयोजीत केल्या.

देवळाच्या दरबार सभाघरांत श्री घाटेश्वर बाल मंडळ खोर्ली वतीन ही कार्यावळ सादर करतले. हातूंत मंथन देश किनळेंकार, मेहा देश किनळेंकार, आकांक्षा रामचंद्र च्यारी, श्रृंगी हेमंत दिवकार, श्रवी हेमंत दिवकार, सार्थक लक्ष्मण किनळेंकार आनी दिपक रामचंद्र च्यारी हे बाल कलाकार वांटो घेतले. तांकां शहर पाळणी पेटी आनी विकास नायक तबल्यार साथ दितले.

खेडें - सावयवेरेंच्या श्री दत्त मंदिरांत घुमट आरती सर्त 4 ऑगस्टाक

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

सावयवेरें: खेडे-सावयवेरें हांगच्या श्री दत्त मंदिराच्या 36 व्या वर्धापन दिसा निमतान ता. 4 ऑगस्ट 2022क 24 वी अखील गोंय घुमट आरती सर्त आयोजीत केल्या. ही सर्त दादले आनी बायलां खातीर जातली.

दादलो गटात पयल्या येवपी 15 पंगडांकूच सर्तींत प्रवेश मेळटलो. जाल्यार बायलांच्या पंगडा खातीर ही सर्त उक्ती आसा. इत्सूक पंगडांनी ता. 21 जुलय मेरेन नांवां नोंद करचीं, अशें आवाहन आयोजकांनी केलां.

हे कार्यावळी खातीर देवळाचे अध्यक्ष संतोष खेडेकार हांचे अध्यक्षते खाला अनंत खेडेकार, विष्णुदास खेडेकार, श्रीकांत खेडेकार, महेश खेडेकार, पांडुरंग खेडेकार, सतीश खेडेकार, प्रसाद खेडेकार, शाम खेडेकार, संदीप खेडेकार, दिलीप खेडेकार, राजेंद्र खेडेकार, मोहन खेडेकार, विनायक खेडेकार, रुपेश खेडेकार, पंढरी खेडेकार, रंगनाथ खेडेकार, कृष्णनाथ खेडेकार, परेश खेडेकार, किरण खेडेकार, किशोर खेडेकार, ओमतेशी खेडेकार, गुरु चाफाडकार, निखिल खेडेकार, जितेंद्र खेडेकार, प्रज्योत खेडेकार,अवीत कडेकार तशेंच बायलां प्रतिनिधी म्हणून अल्पिता खेडेकार, करिष्मा खेडेकार, सविता खेडेकार, गोकुळ खेडेकार, भारती खेडेकार, निकिता खेडेकार हांची समितीचेर निवड जाली.

दनपरां 2.30 वरांचेर श्री बाबुराव भांड्ये, संदेश खेडेकार, सुहास शिलकार, प्रकाश पालकार, सुभाष कडेकार आनी वांगड्यांची भजनाची कार्यावळ जातली. उपरांत सांजच्या 4 वरांचेर घुमट आरती सर्त सुरू जातली.

चड म्हायती खातीर शैलेश खेडेकार (9158362676), योगेश खेडेकार (8698983112) हांचे कडेन संपर्क करचो, अशें कळयलां.

मेणकुऱ्यां आयज गुरूपुनव उत्सव

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

दिवचल: मेणकुरेंच्या सरकार हायस्कूल, सरकारी प्राथमीक शाळा आनी मेणकुरे मराठी सांस्कृतीक केंद्राच्या जोड पालवान गुरु पुनव कार्यावळीचें आयोजन केलां.

ही कार्यावळ सरकारी मुळावे शाळेच्या सभाघरांत आयज, ता. 13 जुलयाक सकाळच्या 11 वरांचेर जातली. हे कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हणून जेश्ठ शिक्षक, बालकवी तशेंच निवृत्त मुख्याध्यापक चंद्रकांत रामा गांवस हाजीर रावतले. तशेंच सरकारी हायस्कूल मेणकुरेंची मुख्याध्यापिका सर्वेदा गांवकार, सहाय्यक शिक्षक गोपाळ धर्मा सावंत, प्रदीप मिशाळ आनी हेर शिक्षक हाजीर रावतले. तशेंच सरकारी मुळावे शाळेची मुख्याध्यापिका आनी मराठी सांस्कृतीक केंद्राची अध्यक्ष स्मिता गुरुदास मिशाळ आनी हेर वांगडी आनी पालक हाजीर आसतले.

ढवळेच्या लोकविश्वास प्रतिष्ठानाचे विशेश शाळेंत वन महोत्सव उमेदीन

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

फोंडें: ढवळी फोंडें हांगा लोकविश्वास प्रतिश्ठानाचे विशेश शाळेंत वन महोत्सव उमेदीन मनयलो. फोंडें वन विभागाचे अधिकारी शेफाली नायक, राजेश नायक आनी हेर कामगार ह्या वेळार हाजीर आशिल्ले.

शेफाली नायक हांणी ह्या वेळार विद्यार्थ्यांक झाडां विशीं म्हायती दिली. तशेंच व्हिडियो दाखोवन जागृताय केली. विद्यार्थ्यांक विवीध झाडां वाटलीं. शेफाली नायक हांचे हस्तुकीं ह्या वाठारांत झाडां रोयलीं.

ढवळी हांगा वृक्षारोपण कार्यावळींत वांटेकार जाल्ले रान अधिकारी आनी विद्यार्थी.

लोकविश्वास प्रतिश्ठानाची सुमेधा भींगी, शिवदास च्यारी आनी हेर कामगारांनी ह्या वेळार सहकार्य केलें. शिक्षिका सुवर्णा कंवळेंकार हांणी येवकार आनी अरविंद मोरे हांणी उपकार मानले.

पेडणें तालुको पांवड्यावेले बोधकथा कथन सर्तींत मैथिली च्यारी पयलें

■ भांगरभूंय | बातमीदार

कोरगांव: कोरगांवच्या श्री कमळेश्वर शिक्षण प्रसारक संस्थेच्या श्री कमळेश्वर उच्च माध्यमीक विद्यालया वतीन गुरु पुनवे निमतान आयोजीत केल्ल्या पेडणें तालुका पांवड्यावेल्या माध्यमीक गटांतल्या बोधकथा कथन सर्तींत हरमल पंचक्रोशी उच्च माध्यमीक विद्यालयाच्या मैथिली श्यामसुंदर च्यारी हाका पयलें इनाम फावो जालें.

देऊळवाडो कोरगांवच्या कमळेश्वर हायस्कुलाच्या काजल बाबासाब माळगीमनीक दुसरें आनी तिसरें इनाम विकास हायस्कूल वळपेच्या वेदांग महेश कशालकार हाका मेळ्ळें. सर्तीक उमेद वाडोवपी इनाम साक्षी सुभाष परब (श्री भगवती हायस्कूल, पेडणें), निलम सद्गुरू गोडकार (मांद्रें हायस्कूल), रुत्वी रामकृष्ण मयेंकार (सेंट जोसेफ हायस्कूल,पेडणें), हांकां फावो जालीं. इनामां फावो जाल्ल्यांक रोख आनी यादस्तीक भेटयलीं.

सर्तीचे परीक्षक म्हणून पेडणेंचे श्री भगवती हायस्कुलाचे आदले मुख्याध्यापक श्री केशव पणशीकर, मोरजेच्या पीटर अलवारीस हायस्कुलाचे आदले मुख्याध्यापक दयानंद मांद्रेंकार आनी कमळेश्वर उच्च माध्यमीक विद्यालायचे अध्यापक विठोबा बगळी हाजीर आशिल्ले. हे सर्तीनी वट्ट 18 सर्तकांनी वांटो घेतलो.

इनामां भेटवण कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हणून आगरवाडो हांगच्या सरकारी हायस्कुलाचे आदर्श शिक्षक पुरस्कार मानेली मुख्याध्यापक सुदन नायक गांवकार हाजीर आशिल्ले. जाल्यार कार्यावळीचे अध्यक्ष सुवातेर श्री कमळेश्वर शिक्षण प्रसारक संस्थेचे चेअरमन श्री परशुराम गावडे, श्री भगवती हायस्कुलाचे आदले मुख्याध्यापक केशव पणशीकार, मोरजेच्या पिटर अलवारीस हायस्कुलाचे आदले मुख्याध्यापक दयानंद मांद्रेंकार, विकास हायस्कूल वळपेचे मुख्याध्यापक नागेश गोसावी, श्री कमळेश्वर शिक्षण प्रसारक संस्थेचे अध्यक्ष धर्मा शेट्ये, सचीव निलकंठ थळी, शाळा वेवस्थापन समितीचे विनोद पित्रे, प्राचार्य जुही थळी, अध्यापक विठोबा बगळी आनी हेर हाजीर आशिल्ले.

कोरगांवच्या श्री कमळेश्वर उच्च माध्यमीक विद्यालयांत आयोजीत बोधकथा सर्तींत वांटेकार जाल्ल्या विद्यार्थ्यां वांगडा सुदन नायक गांवकार, परीक्षक केशव पणशीकार, दयानंद मांद्रेंकार, नागेश गोसावी, चेअरमन परशुराम गावडे, अध्यक्ष धर्मा शेट्ये, सचीव नीलकंठ थळी, प्राचार्या जुही थळी, अध्यापक विठोबा बगळी. (मकबूल माळगीमनी)

मल्लिका गावडे, सुहानी गावडे, पूजा परब, ऐश्वर्या हरमलकार, साची गावडे, सिया साळगांवकार, सिमरन कान्नायिक, प्रतीक्षा गावडे, सानिशा कोरगांवकार, रेखा अदेलकर हांणी सादर केल्ल्या येवकार गीतान कार्यावळ सुरू जाली. तांकां निशा च्यारी हांणी पेटयेर आनी गोपाळ शेट्ये हांणी तबल्यार साथ दिली. जुही थाळी हांणी येवकार आनी प्रास्तावीक केलें.

कार्यावळीचें सुत्रसंचालन भारती कांबळे पंचवाडकार हांणी केलें. दीपश्री सोपटे हांणी मानेस्तांची वळख करून दिली. समीर मांद्रेंकार हांणी उपकार मानले.

पिटर अलवारीस हायस्कुलाचे आदले मुख्याध्यापक दयानंद मांद्रेंकार हांणी दिवली पेटोवन कार्यावळीचें उक्तावण केलें. केशव पणशीकार हांचें ह्या वेळार भाशण जालें. माचयेर दयानंद मांद्रेंकार, चेअरमन परशुराम गावडे, अध्यक्ष धर्मा शेट्ये, सचीव नीलकंठ थळी, प्राचार्य जुही थळी हाजीर आशिल्ले.

श्रीसाई बोडगेश्वर आरती मंडळाचे 'शिव मल्हारी' सिडीचें लोकार्पण

'स्वर नाद' संगीत संमेलनाचें आयोजन: पंगडाच्या वांगड्यांचो जालो भोवमान

■ भांगरभूंय | खबरां मेज

पणजी: फाटल्या पांच वर्सां सावन गोंयभर नांव गाजोवपी म्हापशेंच्या श्रीसाई बोडगेश्वर घुमट आरती मंडळान हालींच 'स्वर नाद' हें संगीत संमेलन बोडगेश्वर देवळाच्या सभाघरांत आयोजीत केल्लें. हें संगीत संमेलन श्रीसाई बोडगेश्वर घुमट आरती मंडळाचे 'शिव मल्हारी' सिडी, पेनड्रायव्ह लोकार्पण कार्यावळी निमतान आयोजीत केल्लें. हे सिडी, पेनड्रायव्ह लोकार्पण कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हणून कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे हाजीर आशिल्ले.

माचयेर मुखेल सोयऱ्यां वांगडा श्रीसाई बोडगेश्वर घुमट आरती मंडळाचे मार्गदर्शक केतन साळगांवकार, नगराध्यक्ष शुभांगी वायंगणकार, समाजसेवक रुपेश कामत, बोडगेश्वर संस्थेचे भांडारी श्यामसुंदर पेडणेंकार, समाजसेवक अमेय नाटेकार, समाजसेवक रोहित पानकार, बांसरी वादक सोनिक वेलिंगकार, सिडीचें रेकोर्डींग केल्ले दौलत पालयेंकार, सिडीचे निर्माते, सुत्रधार हृषिकेश घाडी, मंडळाचे अध्यक्ष विजय कुडणेकार आनी श्री बोडगेश्वर संस्थेचे वांगडी महाबळेश्वर कोरगांवकार हाजीर आशिल्ले.

'शिव मल्हारी' सिडीचें लोकार्पण करतना कला, संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे. कुशीक केतन साळगांवकार, शुभांगी वायंगणकार, रुपेश कामत, श्यामसुंदर पेडणेंकार, अमेय नाटेकार, रोहित पानकार आनी हेर मानेस्त.

'शिव मल्हारी' सिडी लोकार्पण कार्यावळी उपरांत 'स्वर नाद' संगीत संमेलनाक सुरवात जाली. ह्या वेळार गायक अक्षय नायक, सिद्धी शेलकार, नाहुष लोटलीकार हांणी आपल्या आवाजान लोकांचीं काळजां जिंकलीं. तांकां किबोर्डाचेर विष्णू शिरोडकार, तबल्यार तुकाराम बिटये गोवेंकार, ऑक्टापॅडाचेर केतन साळगांवकार, पेटयेचेर सुनाद कोरगांवकार, पखवाजाचेर शैलेश शिरोडकार हांणी साथ दिली. निवेदन गोविंद भगत हांणी केलें.

ह्या वेळार श्रीसाई बोडगेश्वर घुमट आरती मंडळाच्या सगळ्या वांगड्यांचो भोवमान जालो. हातूंत पंगडाचो मुखेल गायक स्वप्नेश नायक, सहगायक तुषार कुंकळ्येंकार, ऋषिकेश घाडी, तेजस कुंकळ्येंकार, अभिलाष आमोणकार, नितेश परब, विस्मय वळवयकार, नितीन नार्वेकार, मयूर डपळापूर, तारक कुंडयकार, अथर्व काकतकार, राहुल नायक, सागर तेंडुलकार, शिरीष पार्सेकार, घुमट वादक विजय कुडणेंकार, ओंकार बेतकार, नितीन कळंगुटकार, शंकर कारेकार, साईनाथ हळर्णकार, प्रजत भोसले, प्रजय कळंगूटकार, शमेळ वादक शुभम हरमलकार, सिद्धेश गोवेंकार, कांसाळें वादक राजिव नार्वेंकार, निवेदन गोविंद भगत, बांसरी सोनिक वेलिंगकार, पेटी सुनाद कोरगांवकार, दौलत पालयेंकार हांचो आसपाव आसा. भोवमान कार्यावळीचें खाशेलेंपण म्हळ्यार ह्या पंगडांच्या कुटुंबियांक माचयेर आपोवन तांकां शाल, श्रीफळ आनी यादस्तीक भेटोवन मुखेल सोयऱ्यां हस्तुकीं भोवमान जालो. तशेंच मंत्री गोविंद गावडे हांचे हस्तुकीं पंगडाचे मार्गदर्शक केतन साळगांवकार हांचोय ह्या वेळार तांचे कुटुंबियां सयत भोवमान जालो.

ह्या वेळार माचये वेल्या मानेस्तांक विजय कुडणेंकार आनी ऋषिकेश घाडी हांणी यादस्तीक भेटयलें. मानेस्तांची वळख श्वेता पार्सेकार आनी करिश्मा घाडी हांणी केली. येवकाराचें उलोवप विजय कुडणेंकार हांणी केलें. सुत्रसंचालन सुरज पिंगे आनी गोविंद भगत हांणी केलें. उपकार तेजस कुंकळकार हांणी मानले.

वास्को गणपती चित्रशाळा गणेशमुर्तींनी सजल्यात

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

मुरगांव: चवथीक फकत देड म्हयनो उरला. सद्या गणेश मुर्त्यो आकार घेवपाक लागल्यात. जाल्यार कांय चित्रशाळा गणेश मुर्तीनीं सजल्यात.

गोंयच्या लोकांची आवडटी परब चवथीक 50 दीस उरल्या. ह्या दिसांनी दरेकल्याचीं पावलां चित्रशाळे कडेन वळ्ळ्यांत. आपले आवडीची गणेश मुर्ती वेंचपाक गणेश भक्तांची गणपती चित्र शाळेकडेन पावलां उबारल्यांत. तशेंच मुर्तीकार गणपतीचे मुर्तीक आकार दिवपाक तल्लीन जाल्यात.

कोरोनाचे फाटभूंयेर मुर्ती करपा खातीर लागपी रंग आनी हेर सामानाचो दर वडला. सगळेच दर वाडिल्ल्यान मुर्तीकारांक मुर्तीच्या दरांत वाड करची पडल्या, अशें वास्कोचे एके चित्र शाळेंतल्या मुर्तीकारान सांगलें.

विंगड विंगड ल्हान, व्हड आकाराच्यो गणेश मुर्ती ह्या चित्रशाळांनी विकपा खातीर उपलब्ध आसात. तांचें बुकींगूय जालां. कांय चित्रकार मुर्त्यांचेर निमाणो हात भोंवडायतना दिसतात. जाल्यार कांय चित्र शाळांनी आजूनय गणपती मुर्त्यांक आकार दिवपाचें काम सुरू आसा.

वास्कोचे एके चित्र शाळेंत उपलब्ध आशिल्ल्यो गणेश मुर्ती. (मिलिंद काकोडकार)

गुरुर्ब्रह्मा गुरुर्विष्णुः गुरुर्देवो महेश्वरः

गिन्यान वापरप हेंच खरें गुरुपुजन

खरें गुरुपुजन म्हणल्यार गुरून दिल्लें गिन्यान आत्मसात करप, आमचें जिवीत यशस्वी जावचें म्हूण गुरू कडल्यान मेळिल्लें गिन्यान वेव्हारांत हाडपाचो यत्न करप हो गुरुपुजनाचो खरो अर्थ

गुरुर्ब्रह्मा गुरुर्विष्णु गुरुर्देवो महेश्वरः।
गुरु साक्षात परब्रह्म तस्मै श्री गुरवे नमः॥

आषाढ शुद्ध पुनवेक गुरुपुनव वा व्यासपुनव म्हणटात. व्यासमुनीं इतले म्हान गुरु आनी आचार्य अजून जावंक नात, अशी श्रद्धा आसा. इतलेंच न्हय तर महर्षी व्यास हांकां भारतीय संस्कृतायेचे शिल्पकार आनी संस्थापक मानताले. धर्मशास्त्र, नीतीशास्त्र, वागणूक, मानसशास्त्र ह्या विशयांचेर तांणी महाभारता सारकिल्लो म्हान ग्रंथ रचलो.

पुराणकाळा सावन भारतांत गुरू- शिश्य परंपरा चलत आयल्या. अश्या गुरूंक मान दिवप, आदरपूर्वक उपकार मानप ही आमची पयली लागणूक. पयलींच्या काळांत शिश्य घर सोडून गुरूच्या आश्रमांत वा घरांत रावताले. गिन्यान मेळोवपा खातीर शिश्याक आपलें सुखी जिवीत सोडचें पडटालें. गुरू वांगडा रावन शिक्षण घेताले आनी शिक्षण पुराय जातकच गुरूक गुरुदक्षिणा दिताले. गुरू म्हणल्यार मार्गदर्शक आनी पुनव म्हणल्यार उजवाड. गुरू कडल्यान मेळिल्ल्या गिन्याना वरवीं जिवीत प्रकाशमान जाता.

संवसाराचें मुळावें गिन्यान आमकां आमच्या पयल्या गुरू कडल्यान म्हणल्यार पालकां कडल्यान मेळटा. इतलेंच न्हय तर जिणेच्या दरेका पांवड्यार पालक आमचे मार्गदर्शक आसता. शिश्याचें बरें मागता, ताचें जिवीत सुखी करपाक योग्य मार्गदर्शन दिता, शिश्य चुकता जाल्यार ताका योग्य आनी अचुक सल्लो दिवपाचो यत्न करता. ताका शिश्या भितरली तळमळ जाणवता, शिश्याचे प्रगतींत स्वता धन्यता मानता तेच खरे गुरू जावं येता. आमचें जिवीत अर्थपूर्ण करपाक जिणेंत गुरूची गरज आसा. जिणेंत बरो गुरू मेळप गरजेचें. जांच्या जिवितांत गुरू आसता तांका जिणेंतल्या सगळ्या बऱ्या वायट गजालींक तोंड दिवपाक आत्मबळ मेळटा.

गुरुपुनवेक गुरुपुजन करपाची एक रीत आसा. गुरुपुजन म्हणल्यार गुरूची पुजा करप वा गुरूक नमस्कार करप न्हय. गुरूक नमस्कार करतना गुरूचो आदर करप म्हत्वाचें आसलें तरी खरें गुरुपुजन म्हणल्यार गुरून दिल्लें गिन्यान आत्मसात करप, आमचें जिवीत यशस्वी जावचें म्हूण गुरू कडल्यान मेळिल्लें गिन्यान वेव्हारांत हाडपाचो यत्न करप हो गुरुपुजनाचो खरो अर्थ, गुरू कडेन सतत कृतज्ञताय आनी आदर आसूंक जाय. अश्या गुरूपूजनांतल्यानच गुरूक खरी गुरूदक्षिणा मेळटा. कारण शिश्य प्रगती करता तेन्ना ती प्रगती पळोवन गुरू खऱ्यांनीच खोशी जाता. खऱ्या गुरूक हो एके तरेचो मान. गुरू बगर जीण ना. देखून खरो गुरू मेळप ही भाग्याची गजाल. ज्यांच्या जिवितांत खरो गुरू आसत ते येसस्वीपणान जगतले.

एकदां ब्रह्मदेवाक 'गुरु' शब्दाचो अर्थ विचारलो तेन्ना ताणें सांगलें खंय, 'ग' कार म्हणजे सिद्ध. 'र' कार म्हणजे पापाचे दहन करपी. 'उ' कार म्हणजे विष्णूंचे अव्यक्त रूप. गुरु होच ब्रह्मा, विष्णू, महेश. हें तांचे त्रिगुणात्मक रूप.

गुरू - शिश्य परंपरा भारतांत पुर्विल्ल्या काळा सावन चलत आयल्या. भारतीय परंपरेंत गुरू-शिष्य जोडयो फामाद आसात. कृष्ण - अर्जुन, अर्जुन - द्रोणाचार्य, एकलव्य - द्रोणाचार्य, चाणक्य - चंद्रगुप्त, जनक-याज्ञवल्क्य, शुक्राचार्य- जनक, सुदाम- सांदिपनी, विश्वामित्र- राम, लक्ष्मण, परशुराम- कर्ण अशी गुरू-शिश्य परंपरा आसा. भारतीय संस्कृतायेंत गुरू सदांच पूजनीय आसा. अर्जुन हो कृष्णाचो इतलो व्हड भक्त आशिल्लो की ताच्या आंगा वेल्या केंसातल्यान लेगीत कृष्णाच्या नांवाचो जप आयकूंक येतालो अशें म्हणटात.

गुरू हो गिन्यानाचो सागर. जलाशयांत उदक भरपूर आसता, पूण मान सकयल बागयले शिवाय एक थेंबूय उदक मेळना. तेच तरेन गुरू मुखार नम्र जायनासतना शिश्य ज्ञान मेळोवचो ना हें सगळ्यांनीच लक्षांत दवरूंक जाय. आमी कोणाचे तरी शिश्य, ही भावनाच मुळांत मनाक धादोसकाय दिता.

- श्वेता श. पालकार
9765945374

गुरु हो सर्वेश्वर, ज्ञानाचो कुबेर.....

गुरु ब्रह्मा, गुरु विष्णू, गुरु देवो महेश्वरा, गुरु साक्षात परब्रह्म, तस्मये श्री गुरवे नमः म्हळ्यार ब्रह्मदेवान ही सगळी सृष्टी निर्माण केल्या, श्री विष्णूक पालनहार तशेच महेश्वर म्हळ्यार नाशक अशे म्हणलां. गुरु हो परब्रह्म आसता. देवा उपरांत आसता तो गुरु. आमच्या भारत देशाच्या प्राचीन काळांत शाळा नाशिल्यो, तेन्ना आशिल्ले तें गुरुकुल. गुरुकुलांत गुरु आसताले आनी थंय येवपी भुरग्यांक शिक्षण मेळटालें. गुरुकुलांत शिकिल्लो भुरगो एक बरो योद्धा जातालो. गुरुकुलांत राविल्लो विद्यार्थी सगळ्या कामांनी लेगीत तरबेज जातालो. आयची शिक्षण पद्धती पयलींच्या पेक्षा खूप वेगळी आसा.

गुरुक परब्रह्म अशें म्हणलां. म्हळ्यार गुरु हो ईश्वरा सारको. जसो ईश्वर वा देव आमकां घडयता आमकां रूप, रंग, शरीर आनी खूप किदें दिवन एक नवो जल्म दिता तशेंच तरेन एक गुरु आपल्या शिष्याक घडयतात. शिष्यां मदीं ज्ञानाचें बीं रुजोवन ताचें रुख जायसर तो झटत आसता. आपल्या शिष्याक तो सर्वगुण संपूर्ण करता. विद्यार्थ्यांची बौद्धीक क्षमता वाडयता.

गुरु हो सर्वेश्वर आसा. गुरु हो ज्ञानाचो कुबेर. शिक्षण ही गुरू कडेन आशिल्ली व्हडली संपत. आनी ती सगळ्यांक वाटपाचें कार्य तो सतत करीत आसता. जितलें ज्ञान तो वाट्टा तितलेंच तें वाडटा. गुरु एक बरो नागरिक घडयता. आपल्या विद्यार्थ्यांक अज्ञानाच्या काळखांतल्यान उजवाडाच्या ज्ञाना कडेन तो पावयता. ज्ञानाचो उजवाड पातळावन शिष्याचो जल्म धन्य करता तो गुरु. हें सगळें तो निस्वार्थपणान करता केन्नाच कसलीच फळाची अपेक्षा करीनासतना तो भरभरून दिता. विध्यार्थ्यां कडल्यान कसल्याच उपकाराची परतफेड जातली वा जावंक जाय हाची अपेक्षा तो केन्नाच करीना. जसो सूर्य धाय दिकांनी उजवाड भरता तसोच गुरु आपल्या शिष्याच्या जीवितान अखंड अशी ज्ञानाची केन्नाच पालवना अशी ज्योत पेटयता.

दर एका गुरुचें सपन आसता आपल्या शिश्यान आपल्या परस व्हड जावचो. ताका नांव लौकिक मेळचें. संवसारात ताचे नांव जावचे तेयं बी सदगुणांक लागून. दुर्गुणाक लागून न्ही.

दर म्हयनाक पुनव आसताच पूण गुरुपौर्णिमा ही तातलीच एक खाशेली अशी पुनव. आषाढ म्हयन्यान येवपी ह्या पुनवेक आपलें खाशेलेंपण आसा. ही पौर्णिमा घेवन येता गुरु आनी शिष्याच्या अतूट अश्या नात्याची गाथा. जसो पुनवेच्या उजवाडान हो संवसार परजळटा तसो हो आपल्या शिष्याचें ज्ञान ताचे जिवीत परजळचें अशी आस दर एका गुरुची आसता. गुरु हो फकत शाळेतूच नासता. मनशाच्या जीवितान खुपशे गुरु आसतात. सगळ्यांत पयलो गुरु म्हणजे आवय. भुरग्याक पोटान आसता तेन्नाच्यानूच ताचेर संस्कार घडयता ताका आमी गर्भसंस्कार अशें म्हणटात. बरें विचार बरी वागणूक, समाजांत कशें वावुरचें हे आमकां आवय आनी बापूय शिकयता. म्हणजे बापूयसुद्धां एक बरो गुरु म्हणल्यार अतिताय जावची ना. तशेंच आमच्या जीवितान आसपाव आशिल्ली कितलीशींच मनशा आमकां बरें कितें शिकोवन वतात तेय बी आमचे गुरूच म्हणू येता.

आमच्या जीवितान आमकां कितल्योच अडचणी येतात, जो सारखी वाट दाखयता तोच खरो गुरु. गुरु आमकां सांगता तें आमी आयकूंक जाय. बरें वाचन, बरें चिंतन करूंक तशेच बरें वळण आमकां गुरूच लायता. सदांच गुरुचे आशीर्वाद घेवचे आनी ताणी सांगिल्या मार्गार चलचें, हीच थारता एका शिष्यान दिल्ली खरी गुरुदक्षिणा.

- शिल्पा वि. लाड
8411007204

गुरूचें महात्म्य

तूं ज्ञानाचो धनी, तूंच गुरु खरो
शिक्षणाचो कुबेर तूं
काळखातलो उजवाड तूं
ज्ञानान पडची भर मज्या
शिष्य हांव तुजो खरो
शिष्य तुजो जावपाक
एक जल्म खंय पुरो
ज्ञानाच्या वाटेत आमी इष्ट
गुणांचें दी दान म्हाका
विचारांची आस तूं
देवाचें जशे राखचें म्हाका
जणू ब्रहस्पतीच तूं, ज्ञानाचो कुबेर तूं,
शिक्षण तुजी संप, वाडयत राव तूं
एक बरो गुरु मेळ्यार
वायट लागचिना भुरग्याक संगत
ज्ञानाच्या मुर्तिक दिता आकार तूं
सर्वगुणसंपन्न ईश्वर जणू तूं
जिणेंतलो काळोख पयस करपी
ज्ञानाचो उजवाड फाकपी
म्हणटात तुका शिक्षक, तूंच आमचो गुरु.
पुनवेच्या दिसा याद गुरुची
गुरुचो मान आसा इतलो व्हड
आसल्यार तूं सदांच
आमकां गरज ना कोणाची
शिष्याक दिता बरी देख,
शिष्याक शिकयता बरे विचार
गुरु ना जांका तांचो
सदांच अर्दकुटो संवसार
तांचो सदांच अर्दकुटो संवसार

म्हजे आवडीचो शिक्षक



शिक्षक म्हटल्यार आपलो गुरु. तांच्या कडल्यान आमका ज्ञान, बरें मार्गदर्शन मेळटा. गुरु आसा म्हणून आयज आमचे सारके विद्यार्थी घडतात.

हांव केरींतल्या सरकारी हायस्कुल केरी शिकताले. तशें शाळेन आमका खूब शिक्षक आशिल्ले पूण आमचो वर्गशिक्षक देसाय सर म्हाका खूब आवडटालो. देसाय सर म्हाका मराठी आनी इतिहास हे विशय शिकयताले. तांची शिकवपाची पद्दत म्हाका खूब आवडताली.

मराठी शिकयतना तें कविता वर्गान गीताच्या चालीन म्हणून दाखयताले. पुस्तकां भायलो कविता सुदां तें आमका शिकयताले. शिकयतना कवितात मेळिल्ल्या शब्दांचे मजेशीर किस्से तें आमका सांगताले. इतिहास शिकयतना इतिहासातले खूब म्हत्वाच्यो घडणुकी तें आमका समजयताले. तांचे पाठांतर खूब बरें आशिल्ले.

तांचे रावप खूब सादे. तांका केन्ना विशया भायले प्रश्न विचारले तर तें सदाच मजत करताले. शाळेंत सर्ती आसल्यो की ते म्हाका मार्गदर्शन करताले. तें सगळ्यांच विद्यार्थ्यां कडे समान वागतालें. म्हज्या सगळ्यां गुरुंक 'गुरुपुनवेची' परबीं.

- वैष्णवी रामा मांगेलकार
केरी- सत्तरी

अणभव होच खरो गुरू

जल्म तें मरणा मेरेन मनीस साबार गजाल्यो शिकत आसता. ह्या प्रवासांत सत्याच्या दिकेन वाट दाखोवपी मार्गदर्शन करपी गुरू प्रत्यक पावलार तांचे वांगडा आसता. जल्म दिवपी आवय – बापूय ह्या गुरुं कडल्यान आमी पयलें पावल उबारपाक शिकतात, मागीर त्या पावलांक अचूक वाटेर चलपाक शिक्षक आदार करतात. इतल्यांत हो प्रवास सोंपना तर प्रत्यक्ष खरों प्रवास तर हांगच्यान सुरू जाता. जिणेंत साबार घडणुको घडटात. बरी घडणूक घडल्यार देवाक ताचें श्रेय दितात आनी वायट घडणूक घडल्यार कर्माक दोश दितात. केन्ना केन्ना जिणेंत नकळत आमका साबार गुरूंचो आदार मेळटा, खरें सांगचे म्हणल्यार आमच्या जिवितांचो खरो गुरू म्हणल्यार आमचो अणभव. ह्या अणभवांतल्यान आमका बरें – वायटाची देख मेळटा. मुखारचो मनीस आमच्या वांगडा कसो वागता, कसो उलयता तांच्या स्वभावातल्यान अमको मनीस आमच्या कडल्यान कितें अपेक्षीत करता आनी तातूंतल्यान आमी घेतिल्लीं देख शिकयता. आमची पुराय सरभोवतणी घडपी दरेक गजाल आमची गुरू म्हणून आमी सकारात्मक नदेरेन तांकां पळयले जाल्यार आमचे जिणेंत आमका केन्नाच गुरूंचो उणाव येवचो ना. ह्या गुरूंच्या मार्गदर्शना खालां आमी केन्नाच चुकीचे वाटे कडेन वळचेनात.

- विष्णू नार्वेकार
7709868431

शिक्षकांचे संदेश - पान 8 चेर...संकलन हर्षाली तळकटकार, प्राची गांवकार, विष्णू नार्वेकार, गौरी म्हावळिंगकार आनी श्वेता पालकार हांणी केलां.

गुरू आमकां साक्षर करतात



गुरू कडल्यान मेळिल्ल्या गिन्याना वरवीं जिवीत प्रबुद्ध जाता. गुरूचे उपकार मानपाचो हो दीस. गुरूक एक अमूकच असो दीस आसना. आमी तांचे कडल्यान सदांच कितें ना कितें तरी शिकतात. गुरू आनी शिश्य हांचे मदलें नातें खूब पवित्र आसता, जिणेंत यशस्वी जावपाक जाय जाल्यार बऱ्या गुरूचें मार्गदर्शन घेवप गरजेचें. आमच्या सगळ्यांच्या जिवितांत गुरूचें मार्गदर्शन म्हत्वाचें आसता.... आनी गुरू बगर गिन्यान ना अशें म्हाका दिसता. गुरु आमकां गिन्यान दिता आनी आमकां घडयता.

आमचे पयले गुरू आमचे आवय आनी बापूय. कारण ती आमकां ल्हानपणासून बरी वागणूक शिकयतात. जेन्ना आमी ह्या संवसारांत जल्मतात तेन्ना तेच आमकां बरें, वायट शिकयतात. मागीर ल्हव ल्हव व्हड जातकच आमी शाळेंत वचपाक लागतात आनी तेन्ना आमकां आमचो दुसरो गुरू, शिक्षक थंय मेळटा. जें आमकां साक्षर आनी बळिश्ट, जाणकार करतात. आमकां सक्षम, कर्तव्यनिश्ठ मनीस करतात.

जल्मा सावन आमी संपर्कांत येवपी सगळ्या गजालींतल्यान, मनशा कडल्यान कितें ना कितें तरी शिकतात. ताकाच लागून आमी बरी जीण जगपाक योग्य जातात. आमच्या शिक्षकांनी शिकयल्ल्या दरेका गजालीचो आमकां आदार जाता. अश्या ह्या गुरुंक, गुरूपुनवे दिसाच सन्मान न दिता, तांका आमी दर दिसा सन्मानान वागोंवक जाय. अश्या ह्या गुरूचें हांव सदांच उपकारी.

- हर्शाली तळकटकार
7030789220

मानवंदना सगल्या गुरुंक

गुरू शिश्य परंपरा ही बऱ्याच शेंकड्या सावन चलत आयल्या अशें म्हणचे परस मनीस जेन्ना सावन जल्माक आयलो, ताचे भितर वेदना संवेदना आयल्यो, आशि-कुशीक घडिल्ल्या घडामोडीं कडेन वा सैमा कडेन बारीकसाणेन पळोवन तातूंतल्यान जगपा खातीर पुरक अशें ज्ञान घेवपाची तांक जेन्ना सावन ताचें भितर आयली, तेन्ना सावनूच ही परंपरा सुरू जाली अशें म्हणल्यार अतिताय जावचिना.

मुखार गुरूकूल पद्दत निर्माण जातकूच ह्या परंपरेक अदीक म्हत्व फाव जालें. उदारण म्हूण घेवचें जाल्यार ऋषी विश्वामित्र, ऋषी सांदीपनी सारक्या गुरूंनी श्री राम, श्री कृष्णाक घडयलें आनी तांच्या ह्या शिश्यांनी पुराय समाजा मुखार एक आदर्श विद्यार्थी कसो आसचो हाची देख दवरली.

गुरूकूल शिक्षणा सावन तें आयच्या आधुनीक शिक्षण परंपरे मेरेन नदर भोवंडायल्यार शिक्षण पद्धतींत बरेच बदल जाल्लें जाणवता. समाज जसो जसो परिवर्तनाची पावलां मारता तसो तसो दर एका गजाली भितर बदल जावप हें साहजीकूच आसता. पूण, गुरूकूल शिक्षण आनी आयचे आधुनीक शिक्षण हातूंत बरेच बदल जरी जाल्लें आसलें तरी विद्यार्थ्यां खातीर गुरूचें वा शिक्षकाचें म्हत्व तितलेंच आसा. तातूंत कायच बदल जाल्लें ना. मुळांत विद्यार्थी म्हणचे परस समाजांत जगतल्या दर एका मनशाक जिणेची वाट चलतना एखाद्या शिक्षकाची वा मार्गदर्शकाची गरज भासतातूच.

दर एका मनशाची 'आवय' हीच ताची सगल्यांत पयली मार्गदर्शक वा शिक्षिका आसता. णव म्हयने जेन्ना ती एखाद्या भुरग्याक आपल्या गर्भांत वाडयता तेन्ना सावनूच ती त्या भुरग्याचेर गर्भसंस्कार करता. भुरग्याक शाळेंत घालचे पयली सावनूच ती ताका उलोवंक, वाचूंक शिकयता. उपरांत बालवाडी तें निमणें शिक्षण घे मेरेन भुरग्यांच्या संपर्कात बरेच शिक्षक येवन वतात, जें तांकां फुडल्या प्रवासा खातीर मार्गदर्शन करतात, शिस्त लायतात, बऱ्या वायटाची जाणीव करून दितात. तशें पळोवंक गेल्यार शिक्षणाक अंत आसचना. मनीस निमण्या श्वासा मेरेन कितें ना कितें शिकत आसता.

गुरू शिश्य आनी एकंदर शिक्षण वेवस्था हें एक पवित्र देवुळ जावन आसा. जंय गुरूंक वा शिक्षकांक आमी देव मानतात. जें पावलां पावलार आमका सादूर करतात, शिटकायतात, जिवनाकडे वेगवेगळ्या दृश्टिकोनातल्यान पळोवपाची तशेंच वायटातल्यान बरें सोदपाची नदर दितात.

मनीस, सैम आनी सैमांतलो दर एक घटक आमचो गुरू जावन आसता. कारण वाटे वयलो वाटसुरो, जनावरां, झाडापेडां, सुकणी सावदाय काय वेळा नकळत आमका बऱ्योचश्यो गजाली शिकोवन वतात. समाजांतल्या ह्या सगळ्या घटकां कडल्यान ज्ञान घेवपा खातीर आमका जाय आसता ती तीव्र नदर जी नदर शिक्षणांतल्यान मेळटा. जी नदर शिक्षक विद्यार्थांक दिता. अशें तरेन समाज, शिक्षक आनी विद्यार्थी हांचे हें एक चक्रूच जावन आसा. जातूंतल्यान बऱ्या वायटाचो अणभव जण एकलो घेता. ताकाच लागून दर एके वाटेर मेळपी ह्या गुरूंक वा शिक्षकांक आमी मान दिवंक जाय. तांणी दिल्ल्या ज्ञानाचें भांडार वाडोवन दर एक विद्यार्थी आपल्या पायार उबो रावून कसल्याय आव्हानांक फुडो करपाक शकतलो वा शिक्षणांतल्यान मेळयल्ल्या बुद्धीच्या बळार मनशांक हितक अश्यो गजाली निर्माण करतलो तीच दर एका गुरूंक मानवंदना थारतली हातूंत दुबाव ना.

- रेशा च्यारी

ज्ञानाचो वापर करूंक जाय

गुरु शिष्य ही परंपरा पयलें पसून चलत आयला. गुरु आसा म्हणून शिष्य घडतात. गुरुचो शिष्याच्या जीणेंत खूब म्हत्व आसा. दरेकाचे जीणेंत गुरुची गरज आसातच. आमी जिणेंत जे कितें कोणा कडल्यान शिकतात तें मागीर आपले परस ल्हान आसूं वा मोठे तें लेगीत आमचे गुरुच. शाळेन शिक्षक विशया प्रमाणे पुस्तकांतले सगळे कितें बरे तरेन भुरग्यांक शिकयतात. गुरु आनी शिष्याचे नातें हें फकत शाळे पुरते नासता तर हेर गजालींनी शिक्षक भुरग्यांक मार्गदर्शन करतात.



जिवीत जगताना आमी सदांच गुरुन शिकयल्ल्या गुणांचो, गजालींचो उगडास करुंक जाय. ते ज्ञान वापरूंक जाय. फकत एक बरो गुरूच आमकां जिणेंत बरो मनीस जावपाक मजत करूंक शकता. आयज आमी जे किदें आसा ते आमचे गुरु खातीर. जिणेंत कळत-नकळत सगळीं आमकां जे कितें शिकयतात ते सगळेच आपले गुरु.

- प्राची गांवकार
सुर्ला-सत्तरी

रोंपां लावन तांची जतनाय घेवप हें विद्यार्थ्यान व्रत म्हणून आपणावचें

विश्वास चोडणकार : विवेकानंद विद्यालयान मनयलो वनमहोत्सव

■ भांगरभूंय | खबरांमेज

पणजी : दरेका विद्यार्थ्यान रोंपां लावप आनी ताची जतनाय घेवप हें व्रत समजुचें आनी तें काम एक कर्तव्य म्हणून करचें अशें आवाहन रान खात्याचे असिस्टंट कन्झर्वेटर विश्वास चोडणकार हांणी केलें.

बोरयेच्या विवेकानंद विद्यालयान वनमहोत्सवा निमतान घडोवन हाडिल्ले कार्यावळींत ते उलयताले. ह्या वेळार माचयेर तांचे वांगडाप्रय् उत्तर गोंयचे डीसीएफ जीस वर्की, एसीएफ अमित गमावत, आरएफओ जोजेफ फर्नांडीस आनी डेप्युटी आरएफओ प्रज्योत नायक हाजीर आसले.

आमी दर वर्सा वन महोत्सव मनयतात. ह्या वेळार आमी स्वातंत्र्याचो 75 वो वर्सपूर्ती सुवाळो मनयतात. ते निमतान 75,000 रोंपां लावचीं आनी तीं वाडोवचीं असो संकल्प रान खात्यान केला. रान खात्याची पुराय टीम वेगवेगळ्या संस्थांच्या आदारान हो संकल्प पूर्ण करपा खातीर वावुरता अशें विश्वास चोडणकार हांणी सांगलें.

विवेकानंद विद्यालयाचे वनमहोत्सव कार्यावळींत उलयतना रान खात्याचे असिस्टंट कन्झर्वेटर विश्वास चोडणकार. कुशीक हेर मानेस्त.

दरेका विद्यार्थ्यान रोंपां लावप आनी तें वाडोवप हें व्रत समजून तें कर्तव्य भावनेन करचें असो उलोय चोडणकार हांणी मारलो.

सगल्या मानेस्तांनी भुरग्यांक वनमहोत्सवाचें म्हत्व सांगलें. दिवली पेटोवन आनी पर्यावरण गीत सादर करून कार्यावळीक सुरवात जाली. शारिरीक शिक्षक दिलीप नायक हांणी सोयऱ्यांची वळख करून दिली.

मॅनेजर प्राध्यापक मीनानाथ उपाध्ये हांणी प्रास्तावीक केलें जालें जाल्यार मुख्याध्यापिका कल्पना बेहेरे हांणी उपकार मानले.

हे कार्यावळी निमतान विंगडविंगड सर्तीय घेतल्यो. विद्यार्थ्यां कडल्यान हे सर्तीक उपाट प्रतिसाद लाबलो.

चित्रकला सर्तींत श्रीहरी पांडे, चैतन्य दीक्षित आनी पियुष गावडे हांकां वळेरेन पयलें, दुसरें आनी तिसरें इनाम फावो जालें. निबंध सर्तींत श्रेयश आटलेकार पयलो, रिद्धी फडते दुसरें आनी समिक्षा बोरकार तिसरें आयलें.

सगल्या जैतवंतांक सोयऱ्यांचे हस्तुकीं इनामां भेटयलीं. कार्यावळीचें सुत्रसंचालन रमेश तंगराला हांणी केलें. फॉरेस्ट गार्ड प्रमोद मुळीक हांणी फाटले चार दीस

आपले टिमी वांगडा येवन सगली तयारी केल्ली. ताका लागून ही कार्यावळ येसस्वी जावंक पावली.

विद्यार्थ्यांनी, शिक्षकांनी आनी पालकांनी व्हडा उमेदीन हे कार्यावळींत वांटो घेतलो.

कुंकळ्ळी पुलीस स्टेशन वाठारांत वनमहोत्सव मनयतकच पुलीस निरिक्षक तुकाराम चव्हाण, प्रा. विदेश देसाय, पालक, शिक्षक, विद्यार्थी आनी नागरीक. (जयेश बोरकार)

पर्यावरणाचो ऱ्हास टाळूंक दरेका नागरिकान एक तरी रोंप लावचें

तुकाराम चव्हाण : कुंकळ्ळी पुलीस स्टेशनांत मनयलो वनमहोत्सव

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

मडगांव: पर्यावरणाचो ऱ्हास टाळपा खातीर दरेका नागरिकान एक तरी रोंप लावचें अशें कुंकळ्ळी पुलीस स्टेशनाचे पुलीस निरिक्षक तुकाराम चव्हाण हांणी सांगलें.

कुंकळ्ळी पुलीस स्टेशनांत मनयिल्ले वनमहोत्सव कार्यावळींत ते उलयताले.

ह्या वेळार कुंकळ्ळी युनायटेड उच्च माध्यमीक विद्यालयाचो निसर्ग क्लब आनी एन. एस. एस. विभागाचे विद्यार्थी, पालक, शिक्षक आनी नागरीक हाजीर आसले.

सध्या पर्यावरणाचो ऱ्हास जावंक लागला. तो टाळपा खातीर दरेका नागरिकान एक तरी रोंप लावचें आनी तें वाडोवचें अशें आवाहन तुकाराम चव्हाण हांणी केलें.

आपल्या उलोवपांत तुकाराम चव्हाण हांणी झाडांचें म्हत्व सांगलें आनी वनमहोत्सव शालेय आनी महाविद्यालयीन पांवड्यारूय मनोवपाची गरज उक्तायली.

ह्या वेळार प्रा. विदेश देसाय हांणी उपस्थीत आशिल्ल्या पुलीस कर्मचाऱ्यांक आनी विद्यार्थ्यांक पर्यावरणाचें म्हत्व सांगलें आनी रोंपां लावप आनी झाडां सांबाळप ही आमची लागणूक आसा हें पटोवन दिलें.

ह्या वेळार विंगडविंगड वखदीं रोंपां तशेंच फुलांचीं आनी फळांचीं रोंपां लावन वनमहोत्सव मनयलो. ह्या वेळार पुलीस निरिक्षक तुकाराम चव्हाण हांचे हस्तुकीं विंगडविंगड रोपट्यांचें वांटप केलें. ही कार्यावळ कुंकळ्ळी पुलीस स्टेशनाच्या वाठारांत जाली.

गोंय खेळां प्राधिकरण
उत्कृष्ट गोंयचें खेलो भारत राज्य केंद्र
क्रमांक SAG/KISCE/RECRUIT-STAFF/2021/1118
तारीख: 09/07/2022
जायरात
गोंय खेळां प्राधिकारण , ही स्वायत्त संस्था, सरकाराच्या फुडारपणा खाला आशिल्ली. खेलो इंडिया स्टेट सेंटर ऑफ एक्सेलन्स येवजणेंत मुखेल प्रशिक्षक जलतरण आनी तरणाटे वेवसायीक पदाचेर कंत्राटी तत्वाचेर निवड करपा खातीर अर्ज मागयता.
इत्सूक आनी पात्र उमेदवारांनी आपले अर्ज ऑनलायन वा ऑफलायन मोडांत थारायिल्ल्या स्वरूपांत परिशिश्ट अ" ह्या ईमेल आयडीचेर गोंय खेळां प्राधिकरणाक ह्या मुखारल्या इमेलीचेर धाडचे, sag.kisce@gmail.com,18/07/2022 (सांजे 5.00 मेरेन.) पावपाक जाय.
तपशील आमच्या संकेतथळार www.tsag.org उपलब्ध आसात. दिल्ले तारखे उपरांत मेळिल्ले अर्ज न्हयकारतले.
अजय आर गावडे
जीसीएस, कार्यकारी संचालक
डीआय/एडिव्हिटी/689/2022
मास्क घालात, समाजीक अंतर पाळात, हाताची नितळसाण राखात.

निबंद लेखन सर्तींत पुनीत तळवणेकार पयलो

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

कोरगांव : संवसारीक पर्यावरण दिसाचो एक वांटो म्हणून गोंय विज्ञान केंद्र, मिरामार हांणी राज्य कुटुंब कल्याण ब्युरो आनी भलायकी सेवा संचालनालय हांच्या जोड पालवान 9 जुलयाक अखील गोंय उच्च माध्यमीक विद्यालय पांवड्यार निबंद लेखन सर्त घडोवन हाडिल्ली.

हे सर्तींत पुनीत मनोहर तळवणेकार (सरकारी उच्च माध्यमीक विद्यालय, पेडणें) हो पयल्या क्रमांकाचो मानकरी थारलो. दुसरें इनाम सावनी प्रशांत कामुलकार (श्री कमलेश्वर उच्च माध्यमीक विद्यालय, पेडणें) हिका फावो जालें जाल्यार तिसरें इनाम मुस्कान हसन छप्परबंद (ज्ञानप्रसारक मंडळ उच्च माध्यमीक विद्यालय, दिवचल) हिणें मेळयलें.

हे सर्तीचें पयलें उमेद वाडोवपी इनाम सर्वज्ञा पाटील (एस. एस. समिती उच्च माध्यमीक विद्यालय, फोंडें) दुसरें दीक्षा तारी (वसंत कुंकळेकार उच्च माध्यमीक विद्यालय) तिसरें बेनाती फर्नांडीस (अवर लेडी ऑफ रोझरी उच्च माध्यमीक विद्यालय, दोना पावला) चवथें मिनोषका पीटर (रोझरी उच्च माध्यमीक विद्यालय, नावेली) आनी पांचवें उमेद वाडोवपी इनाम ऑर्सन अल्वारीस (एस. टी. झेव्हियर उच्च माध्यमीक विद्यालय, म्हापशें) हांकां मेळ्ळें. पुनीताक ह्या येसांत सरकारी उच्च माध्यमीक विद्यालय, पेडणेची प्राचार्य तेमी अल्वारीस, उपप्राचार्य कीर्तीमाला परब आनी हेर शिक्षकांचें मार्गदर्शन लाबलें.

माशेलांत श्री साईबाबा भक्त मंदिरांत आयज गुरूपुनव उत्सवाची कार्यावळ

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

माशेल : तारीवाडो-माशेलच्या श्री साईबाबा भक्त मंदिरांत वर्सावळी प्रमाण गुरूपुनव मनयतले. अंदूं फाल्यां, बुधवारा, 13 जुलयाक गुरूपुनव उत्सव भक्तीभावान आनी उमेदीन मनयतले.

13 जुलयाक फांतोडेर 5 वरांचेर काकड आरती, सकाळी 7.30 वरांचेर येजमान सौ. सुजाता आनी विजयकांत अनंत नार्वेकार हांचे हस्तुकीं श्री साईचरणाचेर पयलीं अभिशेक करतलीं. उपरांत साईभक्त आनी भाविकांक स्वताच्या हातान अभिशेक करूंक मेळटलो. सकाळीं 8 ते 11 मेरेन अभिशेक चलतलो. उपरांत 11 वरांचेर साईभक्त पवन प्रकाश नायक आनी सौ. साईली पवन नायक ह्या दांपत्यांचे वतीन श्री सत्यनारायण महापुजा जातली. उपरांत पुराण आनी दनपरां 12.30 वरांचेर आरती, नैवेद्य आनी महाप्रसाद जातलो.

माशेलांतल्या श्री साईबाबा भक्त मंदिरांतली श्रीची सुंदर मूर्त. (रामानंद तारी)

रातीं 7.30 वरांचेर पालखी आनी रातीं 8 वरांचेर आरती, प्रसाद जावन उत्सवाची सांगता जातली. साईभक्त आनी भाविकांनी व्हडा संख्येन हाजीर रावन श्रीकृपेक पात्र जावचें अशें साईबाबा भक्त मंदिरान कळयलां.

खांडोळ्यां श्री साईबाबा मंदिरांत आज गुरूपुनवे निमतान भजन

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

माशेल : तामसुली-खांडोळेंच्या श्री साईबाबा मंदिरांत फाल्यां, बुधवारा, 13 जुलयाक गुरूपुनव उत्सव व्हडा दबाज्यान जातलो. ते निमतान विंगडविंगड कार्यावळी आयोजीत केल्यात.

13 जुलयाक सकाळीं 7 वरांचेर येजमान सौ प्रीती आनी सुरज श्रीकांत गांवकार हांचे हस्तुकीं श्रीक महाभिशेक जातलो. उपरांत साईभक्त आनी भाविकांक स्वताच्या हातान अभिशेक करूंक मेळटलो. उपरांत आरती आनी तीर्थप्रसाद जातलो. सांजवेळा 4 वरांचेर बेतकीच्या श्री साईबाबा भजनी मंडळाचे वतीन भजनाची कार्यावळ जातली. हातूंत शंकर फडते, गिरीश नायक, महादेव जल्मी, राजा घाडी, आनंद घाडी हे कलाकार सहभागी जातले. तांकां पुंडलीक घाडी हार्मोनियमाचेर आनी राजू नायक तबल्याचेर संगीत साथ दितले.

सांजवेळा 7 वरांचेर गणेशनगर-खांडोळेंचे सेवानिवृत्त मुख्याध्यापक गोपाळ गुरव हांचें गुरूपुजन जातलें.

गोंय सरकार
कार्यकारी अभियंत्याचें कार्यालय
कामाचो विभाग XVII (PHE-N)
भौशीक बांदकाम खातें
आल्त,पर्वरी बार्देस गोंय
ई निविदा कळोवणी
क्र:PWD/DXVII/PHE-N/ASW/F-24-E/21/2022-23
तारीख: 11/07/2022
1) ऑनलायन अर्जाची निमाणी तारीख: 18/07/2022 दनपारां 3 मेरेन.
2) ऑनलायन पद्दतीन निविदा सादर करपाची निमाणी तारीख: 18/07/2022 दनपारां 3 मेरेन.
3) ऑनलायन निविदा उक्ती करपाची तारीख आनी वेळ: 20/07/2022 सकाळीं 11.30 वरां उपरांत.
चड म्हायती खातीर कार्यकारी अभियंत्याचें कार्यालय, कामाचो विभाग XVII (PHE-N) भौशीक बांदकाम खातें, आल्त,पर्वरी गोंय हांगा संपर्क सादचो.
वेबसायट:https://eprocure.goa.gov.in
डीआय/एडिव्हिटी/690/2022
मास्क घालात, समाजीक अंतर पाळात, हाताची नितळसाण राखात.

मुर्तीकार कामांत गुल्ल : मुर्तींचें बुकींग फुल्ल

गणपतीच्या चित्रशाळांतले सगलेच हात कामाक गुंतल्यात

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

आगशी : चवथ लागीं पावल्या. बाप्पा येवपाक लागीं लागीं देड म्हयनो उरला. गोंयकारांक आतां सावनूच चवथीचे वेध लागल्यात. अंदूं कसलो गणपती हाडुया, मखर कसल्या फोलींनी सजोवया हाचेर चर्चा चालू आसा. गणेशमुर्ती साकारपी मुर्तीकार तर आतां सामकेच बिझी आसात. तांचीं जागरणां सुरू जाल्यांत. ऑर्डरी दिल्ल्या गिरायकांक 'इन टायम' गणेशमुर्ती दिवपा खातीर तांची धडपड चालू आसा. गणपतीच्या चित्रशाळांनी हजारांनी हात कामाक गुंतल्यात. मुर्तीकारांक फालतू कामांक वेळ ना. तांच्या मनांत आतां एकूच ध्यास : चवथी आदीं गणपतीच्यो मुर्ती तयार जावंक जाय, उतराक जागूंक जाय, लोकां मेरेन पावूंक जाय, मखरांत बसोवंक मेळूंक जाय. कांय कडेन मुर्तीचें बुकींग फुल्ल आसा. कांय कडेन बुकींग सुरू जालां.

गोंयांत चवथ म्हणल्यार दिवाळीच कशी. गोंयकारांक चवथीची परब म्हणल्यार पर्वणी. फाटलीं दोन वर्सां कोरोनाक लागून चवथीचे उमेदीचेर विरजण पडिल्लें पूण आतां सगले नवे उमेदीन, नव्या उत्साहान, नवे उर्बेन वावरूंक लागल्यात. मुर्तीकारूय ताका आडवाद नात. गोंयच्या सगल्याच गणपतीच्या चित्रशाळांतले हजारांनी हात गणपती साकारूंक झुजा पांवड्यार कामाक लागल्यात. कांय कडेन गणपतीच्या मुर्तींचेर रंग मारपूय सुरू जालां. ऐन वेळार गडबड जावची न्हय, अडचण जावची न्हय म्हणून गिरायकांनी मुर्तीचें बुकींग करप सुरू केलां.

रंगकामा आदली गणपतीची मूर्त. (किशोर स. नायक)

अशीच एक आकर्शक गणपतीची मूर्त. (किशोर स. नायक)

'आदले दर आतां परवडनात'

आदल्याच दरान मूर्त दिवप आतां परवडना. कारण मूर्त तयार करपा खातीर लागपी सामान दुपेटीन वाडलां. तातूंत कामगारांची बिदागीय आसा. चिकणमाती, रंग, साचे, अळंकार, मुर्तींचेर बारीकसारीक काम करपी कलाकार आनी हेर गजाली खूब म्हारग जाल्यात. खर्चाचो ताळमेळ बसोवपा खातीर सरकारान अश्या मुर्तीकारांक थोडो भोव आदार दिवंक जाय अशें बिठ्ठोणचे गणपती चित्रशाळेंतल्या एका मुर्तीकारान सांगलें.

कांय चित्रशाळांनी शेजारच्या राज्यांतल्यो मुर्तीय हाडल्यात. तातूंत पौराणीक, समाजीक आनी राजकी विशया वयल्या मुर्तींचोय आसपाव आसा.

कोरोनाक लागून सामान्य मनशां वांगडा मुर्तीकारांचेरूय परिणाम जाल्लो. पूण आतां परिस्थिती सुदारल्या. ताका लागून गणेशमुर्ती घडोवपी मुर्तीकार आतां नवे उमेदीन कामाक लागल्यात. चवथ अंदूं 31 ऑगस्टाक आयल्या. ते आदीं मुर्ती तयार जावंक जाय हो ध्यास मुर्तीकारांक लागला. कांय लोक चवथीच्या आदल्या दिसाच गणपती घरा व्हरतात. देखून तांची अडचण जावची न्हय म्हणून मुर्तीकार चवथीच्या आदल्या दिसा मुर्ती तयार दवरतात. कांय चित्रशाळांनी मुर्तीकाम, रंगकाम तशेंच सजावटीचें काम सुरू जालां. मुर्तीकार उसरपत घेनासतना वावराक लागल्यात. ल्हान मुर्ती पासून व्हड मुर्ती साकारपाचो वावर चालू आसा. तरणाटी पिळगीय जाण्टेल्यांची परंपरा तिगोवपा खातीर मातयेंत हात घालूंक लागल्या आनी वेगवेगळ्या आकाराचे, वेगवेगळ्या रंगांचे, वेगवेगळ्या धाटणीचे गणपती तयार करूंक लागल्या. बायलांय उमेदीन तांकां हातभार लावंक लागल्यांत. गणपतीच्या कांय चित्रशाळांनी भौशीक गणपतीच्यो मुर्तीय करप चालू आसात. घरचो गणपती गिरायक आपले आवडी प्रमाण सांगतात जाल्यार भौशीक गणेशोत्सव मनोवपी मंडळां व्हड मुर्ती घेवप पसंत करतात. कांय कडेन देड दीस, पांच दीस, सात दीस, णव दीस आनी भौशीक गणपती 11 आनी एकवीस दिसूय आसता.

उत्तर गोंय जिल्लो पंचायत
जुन्ता हावस, ५वी माळी, ३रें लिफ्ट
पणजी गोंय
क्र: NGZP/e-Tender/10/2022-23/05/365 तारीख: 12/07/2022
निविदा कळोवणी
(ई निविदे वरवीं)
उत्तर गोंय जिल्लो पंचायत, पणजी गोंय, हांचे वरवीं मुखेल कार्यकारी अधिकारी निविदा क्र: NGZP/e-Tender/10/2022-23/05/365 खातीर भौशीक बांदकाम खात्याच्या अणभवी कंत्राटदारां कडल्यान,पात्र आनी सीपीडब्लयुडी/राज्य, पीडब्लयुडी रेल्वेस एमईएस हांच्या वळेरेंत आशिल्ल्या कंत्राटदारां कडल्यान ऑनलयान टक्के दर निविदा मागयता.
चड म्हायती खातर https://eprocure.goa.gov.in हे वॅबसायटीक भेट दियात.
डीआय/एडिव्हिटी/692/2022
मास्क घालात, समाजीक अंतर पाळात, हाताची नितळसाण राखात.

उत्तर गोंय जिल्लो पंचायत
जुन्ता हावस, ५वी माळी, ३रें लिफ्ट
पणजी गोंय
क्र: NGZP/e-Tender/10/2022-23/08/364 तारीख: 12/07/2022
निविदा कळोवणी
(ई निविदे वरवीं)
उत्तर गोंय जिल्लो पंचायत, पणजी गोंय, हांचे वरवीं मुखेल कार्यकारी अधिकारी निविदा क्र: NGZP/e-Tender/10/2022-23/08/364 खातीर भौशीक बांदकाम खात्याच्या अणभवी कंत्राटदारां कडल्यान,पात्र आनी सीपीडब्लयुडी/राज्य, पीडब्लयुडी रेल्वेस एमईएस हांच्या वळेरेंत आशिल्ल्या कंत्राटदारां कडल्यान ऑनलयान टक्के दर निविदा मागयता.
अर्जां खातीर निमाणी तारीख 25/07/2022 दनपारां 1.00 मेरेन
अकांवट विभागांत निविदा अर्जाच्या फारीकपणा खातीर तारीख आनी वेळ 2A6/07/2022 दनपारां 1.00 मेरेन
सीलबंद निविदा अर्जा खातीर तारीख आनी वेळ: 26/07/2022 दनपारां ३ मेरेन
निविदा उक्ती करपाची तारीख आनी वळ: 28/07/2022 दनपारां 3 मेरेन.
डीआय/एडिव्हिटी/693/2022
मास्क घालात, समाजीक अंतर पाळात, हाताची नितळसाण राखात.

नुस्तेमारी खातें
गोंय सरकार
दयानंद बांदोडकर मार्ग, पणजी-गोंय
फोन: (0832) 2224838 फॅक्स: (0832) 2231049
ईमेल: dir-fish.goa@nic.in
वॅबसायट: www.fisheries.goa.goa.in
क्र: DF/GB/FISH BUYING AGENTS/VOL.II/2022-23/2139
तारीख: 11/07/2022
अर्ज मागोवपाची कळोवणी
नुस्तेमारी खातें, पणजी गोंय, पात्र एजंसी वा व्यक्ती कडल्यान मालीम, कुटबणा, शापोरा आनी वास्को नुस्तेमारी जेटीं कडेन आशिल्ल्या 'गोंय राज्यांतल्या नोंद आशिल्ल्या नुस्तेमारी बोटीं कडल्यान चड प्रमाणांत नुस्तें विकत घेवपाची नुस्त्याचे वेपारी' म्हूण वळख जाता अशा कडल्यान अर्ज मागयता.
नुस्तेमारी खातें, दयानंद बांदोडकर मार्ग, पणजी-गोंय हांगाच्यान आनी संबंदीत जेटींकडेन आशिल्ल्या कार्यालयांतल्यान अर्ज व्हरूं येता. तशेंच हे अर्ज नुस्तेमारी खात्याच्या www.fisheries.goa.goa.in हे वॅबसायटी वयल्यान डावनलोड करूं येता.
पुराय भरिल्लो अर्ज, गरजेच्या कागदपत्रां सयत नुस्तेमारी खात्याच्या कार्यालयांत 19/07/2022 मेरेन पावपाक जाय.
वेगवेगल्या केंद्रां खातीर वेगवेगळे अर्ज करचे पडटले.
टपालांतल्या कळाव जाल्यार ताका खातें जबाबदार आसचें ना.
पुराय भरुंक नाशिल्ले अर्ज रद्द करतले.
खंयचोय वा सगळे अर्ज कसलेंच कारण दिनासतना स्विकारपाचो आनी रद्द करपाचो अधिकार नुस्तेंमारी खातें दवरता.
डॉ. शर्मिला मोंतेरो
संचालक, नुस्तेंमारी खातें
डीआय/एडिव्हिटी/691/2022
मास्क घालात, समाजीक अंतर पाळात, हाताची नितळसाण राखात.

म्हत्वाचें थोडे भितर

बायलांची फुटबॉल: इंग्लंडाचें आठ गोलांनी जैत

लंडन: इंग्लंडान बायलांचे युरो बाद फेरयेंत सुवात मेळयली. तशेंच युरोपीयन चॅम्पियनशिपींत आठ गोल करपाचो विक्रम लेगीत ताणें नोंदयलो. ताणें नॉर्वे पंगडाक 8-0 अशा गोल फरकांनी हारयलो. इंग्लंडान 12व्या मिनटा भितर आघाडी घेतली. जॉर्जिया स्टेनवे हिणें पॅनल्टीचेर गोल करून स्कोर 1-0 असो केलो. तीन मिनटां उपरांत लॉरेन हेम्पान गोल करून स्कोर 2-0 केलो. 29व्या मिनटाक तिसरो गोल केलो. पूण, उपरांत इंग्लंडान 13 मिनटां भितर 4 गोल करून नॉर्वेची हार निश्चीत केली.

फुडल्या वर्सा ऑस्ट्रेलियन ओपनांत खेळपाचो जोकोविचाक विस्वास

बेलग्रेड: फुडल्या वर्सा जावपी ऑस्ट्रेलियन ओपन टॅनीस सर्तीत आपूण वांटो घेवंक शकतलो असो आदलो पयल्या क्रमांकाचो सर्बियाचो नोवाक जोकोविचान विस्वास उक्तायला. अंदूं जाल्ले ऑस्ट्रेलियन ओपनांत कोवीड-19ची लस घेवंक नाशिल्ल्यान ताका सर्तीत वांटो घेवंक दिवंक नाशिल्लो, तशेंच ताका ऑस्ट्रेलियेंतल्यान हद्दपार केल्लो. जोकोविचान पोरूं ऑस्ट्रेलियन ओपन, फ्रॅंच ओपन आनी विम्बल्डन सर्त जिखिल्ली. पूण, अंदूं खेळपाक दिवंक नाशिल्ल्यान ताका ऑस्ट्रेलियन ओपनाच्या किताबाची राखण करपाक जमूंक नाशिल्ली.

बूम बूम बुमराचें धुमशेण

वन डे माळ: पयले खेपे इंग्लंडाक 10 विकेटींनी हारयलो

■ खबरां संस्था

लंडन: तीन वन डे मॅचींचे माळेंत भारतान येजमान इंग्लंडाक 10 विकेटींनी हारयलो. भारताच्या वन डे क्रिकेटीच्या इतिहासांत पयलेच खेपे इंग्लंडाक 10 विकेटींनी हारयलो. भारतान इंग्लंडा आड सगल्यांत पयली वन डे मॅच 1974त खेळिल्लो.

भारतान टॉस जिखून पयलीं बॉलींग करपाचो निर्णय घेतलो. रोहीत शर्माचो हो निर्णय फास्ट बॉलर जसप्रीत बुमरान योग्य थारतलो. ताणें फक्त 19 धांवड्यो दीत 6 विकेटी घेतल्यो. वन डे कारकिर्दींतलें ताचें हें सर्वोत्कृश्ठ प्रदर्शन आसा. ताच्या ह्या प्रदर्शना नेटार इंग्लंडाचो डाव 25.2 ओव्हरींनी 110चेर सोंपलो. इंग्लंडाचो भारता आड हो सगल्यांत उणो स्कोर आसा.

भारतान 18.4 ओव्हरींनी 114 धांवड्यो करून जैत जोडलें. रोहीत शर्मान 58 बॉलांनी सगल्यांत चड नाबाद 76 धांवड्यो केल्यो. हातूंत सात चवके आनी पांच सक्यांचो आस्पाव आशिल्लो. शिखर धवनान 54 बॉलांनी नाबाद 31 धांवड्यांची खेळी केली.

मोखीचो फाटलाव करपी भारतान सादूर सुरवात केली. रोहीत शर्मान सेट जाल्या उपरांत आक्रमक खेळी करपाक सुरवात केली. दुसरे वटेन धवनान ताका बरी साथ दिली.

भारता वतीन सगल्यो विकेटी फास्ट बॉलरांनी घेतल्यो. भारताच्या वन डे क्रिकेटीच्या इतिहासांत असो पराक्रम जावपाची ही दुसरी खेप. हाचे आदीं 2014त बांगलादेशा आड मिरपूर वन डे मॅचींत सगल्यो विकेटी फास्ट बॉलरांनी घेतिल्ल्यो. स्टुअर्ट बिन्नीन 6 आनी मोहीत शर्मान 4 विकेटी मेळयिल्ल्यो.

बुमरान आपले पयले आनी मॅचीचे दुसरे ओव्हरींत इंग्लंडाक दोन धपके दिले. ताणें जेसन रॉयाक (0) बाद केल्या उपरांत जो रुटाक लेगीत शुन्याचेर तंबूंत धाडलो. अशे तरेन ताणें इंग्लंडाची स्थिती 2 बाद 6 अशी केली.

बुमरा उपरांत फुडले म्हणल्यार तिसरे ओव्हरींत मोहम्मद शमीन इंग्लंडाचो स्टार खेळगडो बेन स्टोक्साक लेगीत शुन्याचेर बाद केलो.

ते उपरांत बुमरान 20 बॉलांनी 7 धांवड्यो करपी जॉनी बॅयरस्टोक लेगीत बाद करून इंग्लंडाची स्थिती 5.3 ओव्हरींनी 4 बाद 17 अशी केली. ताणें मॅचीचे आठवे ओव्हरींत पांचव्या बॅट्समनाक बाद करीत इंग्लंडाचो अर्द पंगड 26 धांवड्यांचेर तंबूंत धाडलो. बुमरान लीम व्हिंगस्टोनाच्या रुपांत आपली चवथी शिकार केली.

अशे परिस्थितींत मोईन अली आनी जॉस बटलर हांणी इंग्लंडाचो डाव सांबाळपाचो यत्न केलो. पूण, प्रसिद्ध कृष्णान मोईन अलीक 14 धांवड्यांचेर बाद करीत ही जोडी फोडली. शमीन 30 धांवड्यो करून झूज दिवपी बटलराक बाद करून इंग्लंडाक व्हड धपको दिलो.

बटलर बाद जाल्या उपरांत डॅव्हीड विली (21) आनी ब्रॅण्डन कार्से (15) हांणी इंग्लंडाचो शंबराचो आंकडो हुपून दिलो. पूण, बुमरान ह्या दोगांकूय बाद करून इंग्लंडाचो डाव 110चेर सोंपयलो.

जसप्रीत बुमरा

ओव्हर:	7.2
मेडन:	03
धांवड्यो:	19
विकेटी:	6

भारताच्या बायलांच्या क्रिकेट पंगडाची घोशणा

राष्ट्रकूल खेळां सर्त: हरमनप्रीत कौर मुखेली, पयलीं मॅच 29वेर

■ खबरां संस्था

नवी दिल्ली: भारतीय क्रिकेट नियामक मंडळान (बीसीसीआय) राष्ट्रकूल खेळां सर्ती खातीर भारताच्या बायलांच्या पंगडाची घोशणा केली. हरमनप्रीत कौर पंगडाचें फुडारपण करतली. जाल्यार स्मृती मंधाना उप मुखेली आसतली.

भारत आपली पयली मॅच 29 जुलयाक संवसारीक वस्ताद ऑस्ट्रेलिये आड खेळटलो.

बीसीसीआयन 15 वांगड्यांच्या पंगडाची घोशणा केली. राष्ट्रकूल खेळा खातीर वेंचिल्ल्या पंगडांत व्हड अजापभरीत निर्णय घेवंक ना. श्रीलंके आड हालींच वन डे आनी टी-20 माळेंत खेळपी खेळगड्यांकूच संद दिल्या. आक्रमक युवा विकेटकीपर बॅट्समन ऋचा घोष हिका 15 वांगड्यांच्या पंगडांत सुवात मेळूंक ना. हो एकूच निर्णय धपको बसपी आसा. तिचे सुवातेर तानिया भाटियाक घेतलां. टी-20 कारकिर्दींत तिणें फक्त 9चे सरासरीन धांवड्यो केल्यात. विकेटकीपराची जापसालदारकी लेगीत तीच सांबाळपाक शकता.

टी-20 प्रकारांत भारता खेरीत संवसारीक वस्ताद ऑस्ट्रेलिया, येजमान इंग्लंड, न्युझिलॅण्ड, दक्षीण आफ्रिका आनी पाकिस्तान हांचे सयत कांय व्हड पंग वांटो घेतले.

भारताक ऑस्ट्रेलिया, पाकिस्तान आनी बारबाडोस ह्या पंगडां वांगडा अ गटांत दवरला.

पंगड: हरमनप्रीत कौर (मुखेली), स्मृती मंधाना (उप मुखेली), जेमिमा रॉड्रिग्स, शेफाली वर्मा, एस मेघना, तानिया भाटिया (विकेटकीपर), यास्तिका भाटिया (विकेटकीपर), दिप्ती शर्मा, पुजा वस्त्राकर, राजेश्वरी गायकवाड, मेघना सिंग, रेणुका सिंग, राधा यादव, हरलीन देओल आनी स्नेह राणा.

भारताक पयलें जैत

बायलांची संवसारीक हॉकी सर्त

■ खबरां संस्था

टेरेसा: मुखेली आनी विकेटकीपर सविता हिच्या उत्कृश्ठ प्रदर्शना नेटार भारतान काल एफआयएच बायलांचे संवसारीक हॉकी सर्तीचे क्लासिफिकेशन मॅचींत कॅनडाक शुटआवटांत 3-2 फरकान हारयलो. सर्तींतलें ताचें हें पयलें जैत थारलें.

निर्धारीत वेळांत दोनूय पंगड 1-1 अशे बरोबरींत आशिल्ले. मेडेलायन सेकोन 11व्या मिनटाक कॅनडाचें खातें उगडिल्लें. पूण, 58व्या मिनटाक सलीमा टेटेन गोल करून भारताक बरोबरीचेर हाडलो.

भारताच्या जैतांत म्हत्वाची भुमिका गोलकीपर सवितान वठयली. णववे ते 16वे सुवाते खातीर क्लासिफिकेशन मॅचींत सवितान शुटआवटांत प्रतिस्पर्धी पंगडाचे स यत्न फुकट घालयले. जाल्यार नवनीत कौर, सोनिका आनी नेहा हांणी गोल करून भारताचें जैत निश्चीत केलें.

आयपीएलांत नाका, भारता वतीन जाय विसव: गावस्कर

■ खबरां संस्था

नवी दिल्ली: भारताचो पंगड वॅस्ट इंडिजाचे भोंवडेर तीन वन डे आनी पांच टी-20 मॅची खेळटलो. वन डे माळे खातीर ज्येश्ठ खेळगड्यांक विसव दिवपाचो घेतला.

विराट कोहली आनी रोहीत शर्मा हे तंदुरुस्त आसात. तरी लेगीत निवड समितीन तांकां दक्षीण आफ्रिके आडचे टी-20 माळे खातीर विसव दिल्या उपरांत आयर्लेण्डा आडचे टी-20 माळे खातीर आनी आतां वॅस्ट इंडिजा आडचे वन डे माळे खातीर विसव दिला. भारताचो आदलो मुखेली आनी ओपनर बॅट्समन सुनील गावस्करान वरिश्ठ खेळगड्यांक आंतरराष्ट्रीय मॅचीं खातीर विसव दिवपाचेर प्रस्नचिन्न उपस्थीत केला.

भारताचे मॅचीं खातीर खेळगड्यांक विसव दिवप आपल्याक मातूय मान्य ना. तुमी भारता खातीर खेळटात. तुमी आयपीएलांत विसव घेनात, मागेर देशा खातीर खेळटना तांकां विसव कित्याक जाय असो प्रस्न गावस्करान केला.

गुरुपुनव विशेश

गुरुर्ब्रह्मा गुरुर्विष्णु: गुरुर्देवो महेश्वर:

गुरू म्हणटात...

जल्मभर शिश्य रावया

गुरू म्हळ्यार ज्ञान दिवपी आनी पुनव म्हळ्यार प्रकाश. आमचो पयलो गुरू आवय, दुसरो गुरू शिक्षक, जो निराकाराक आकार दिता. गुरू हो शब्द व्यक्त करप, ताची व्याख्या करप भोव कठीण. कारण जल्म ते मरणा मेरेन मनीस हो शिष्य आसता आनी ताका वाट दाखोवपी असंख्य गुरू ताचे वाटेर जल्मभर येतात. जल्मभर शिष्य रावया आनी आमच्या गुरूंक सदांच आदर दिवया.

- किरण पालकार
(साहाय्यक प्राध्यापक, सरकारी महाविद्यालय, खांडोळें)

जिणेक आकार दिता

गुरू हो सदांच देवाच्या स्थानाचेर आसता. ताणेंच आमचे जिणेक आकार दिला. ज्या शिक्षकांच्या शिकवणेक, मार्गदर्शनाक लागून आयज आमी ध्येय साध्य केलें, तशेंच जिणेंतलें पयलें पावल मारपा खातीर, जिणें मुल्ल्यां शिकोवपा खातीर, प्रत्येक अडी-अडचणी वेळार जाणी आमकां साथ दिली, बरी दिशा दाखयली, आमचो वांगड सोडलो ना त्या प्रत्येक गुरूक हांव गुरूपौर्णिमेच्या निमतान, देव बरें करूं म्हणटां.

- अनिजा शिरोडकार
(सहाय्यक प्राध्यापक, धेंपे महाविद्यालय, पणजी)

सगळ्या कडल्यान शिकतात

एक म्हणी आसा की 'आवय भुरग्यांची पयली गुरू, आनी तें खरें. आमच्या जिविताच्या दरेका पांवड्यार आमी कितें तरी बरें शिकतात तें एका मनशा कडल्यान न्हय तर आमी ज्या सगळ्यां वांगडा रावतात, जांचे कडेन उलयतात वा कोणा कडेन लेगीत काम करतात ताचे कडल्यान आसूं येता. आयज हांव जें आसां तें जावपाक म्हज्या जिवितांत कळत- नकळत आदार, मजत केल्ल्या म्हज्या सगळ्या गुरूंचे काळजा सावन उपकार. सगळ्यांक गुरुपूनवेची परबीं.

- अस्मिता अशोक गांवकार
(सरकारी हायस्कूल सुर्ला- सत्तरी)

बऱ्या विचारांचें आचरण जाय

गुरुपुनवेचें म्हत्व समाजीक आनी आध्यात्मिक पांवड्यार सगळ्यां मेरेन पावोवप, ते भावनेन सगळ्यांनी गुरुची देख घेवन बऱ्या विचारांचें आचरण करप गरजेचें आसा. हे खातीर आमी आमच्या दिसपट्टे जिणेंतल्यान तें मुखार व्हरपाक जाय, जाचे खातीर पालकांनी आनी शिक्षकांनी हाचें म्हत्व पटवून दिवपाक जाय.

- प्रिया महेश गांवकार
(डॉ. के. ब. हेडगेवार विद्यालय फोंडा)

दरेक परिस्थिती ही गुरूच

हांव मानता, तुमच्या जिवितांत तुमकां मेळपी दरेक मनीस, दरेक परिस्थिती सगळें तुमकां कितें तरी शिकयताच. आनी हें सगळें आमचे गुरु. तांतूतल्यान आमी कितें ना कितें शिकतातूच. आमचे जिणेंत येवपी आडमेळीं पयस करुन मुखार सरपाक आमचे शिक्षक मार्गदर्शन करतात. गुरूपूनवेची परबीं.

- वंदना गो. गांवकार
(सरकारी उच्च माध्यमिक शाळा खांडोळें)

गुरु स्मरणाचो दीस

गुरूपौर्णिमा हो भारतीय संस्कृतीतलों गुरूचे स्मरण करपाचो दीस. अशे म्हणटात मातृऋण, पितृऋण आनी गुरूऋण केन्नाच फिटना. मनीस जल्माक येताच ताचो पयलो गुरू ताची आवय – बापूय आनी मागीर ताच्या जिवीतांत ताका मार्ग दाखोवपी हें सगलें ताचें गुरू आसता. अश्या म्हज्या सगल्या गुरूंक शत शत प्रणाम.

- वृंदा खानोलकार
(उच्च माध्यमीक विद्यालय नवें वाडे – वास्को)

जीण पर्जळीत करता

वेदीक काळा सावन भारतांत गुरू शिष्य परंपरेक खूप म्हत्व दिलां. गुरू आमकां काळखांतल्यान गिन्यानाचो उजावाड दिवन आमचें जिवीत परजळीत करता. आयज जरी हे परंपरेचे स्वरूप बदल्लां तरी आमी विसरूंक जायना की आमी जें कितें आसात ते गुरू खातीर. आमका सगळ्यांत पयली मार्गदर्शन करपी आमचे आवय – बापूय हें आमचे पयले गुरू हें आमी विसरूंक जायना. म्हज्या सगल्या गुरूजनाक गुरू पुनवेची परबीं.

- शिवदीप नायक (8806845480)

जिणेचो पाठ शिकोवपी...

जेन्ना सगळ्यो वाटो बंद जातात तेन्ना नवी वाट दाखयता तोच गुरू. फक्त पुस्तकी गिन्यान न्हय, तर जिणेचो पाठ शिकयता तोच गुरू, गुरू पुनवेचीं सगळ्यांक परबीं

- संपदा विष्णु सवासे
(डॉ हेडगेवार उ. मा. वि. कुजिरा)

परमेश्वराचें स्वरूप

गुरू म्हळ्यार साक्षात परमेश्वराचे स्वरूप. अशें म्हणटात गुरू होच ब्रह्मा, विष्णू आनी महेश. ही तिनूय रूपां आमी गुरू भितर पळोवंक शकतात. अज्ञानाच्या काळातल्यान गिन्यानाचो उजवाड दाखोवपी कोण? तर तो गुरूच जावन आसता. अश्या ह्या गुरूक म्हजें शतश: प्रणाम.

- परेश रामनाथ शेट वेरेंकार
(वाडेंनगर उच्च माध्यमिक महाविद्यालय, नवें वाडे - वास्को)

गुरूक पयलें नमन !

आयज मेरेन आयुश्यायें हें आंगण सोबीत, सुंदर आनी तितलेंच घटमूट करपाक खुब्ब गुरूंनी आदार केलो. तर जिविताचे पांयवाटेर चलताना जांणी जांणी मार्ग दाखयलो आनी जिविताचो धडो अणभवांतल्यान, हाताक धरून गिरोवन घेतलो तें सगलें म्हजा खातीर म्हजें गुरू. जल्माक घालपी आवय- बापाय वांगडाच आनीक कोणाकूय आदी नमन करचें जाल्यार तें गुरूक. म्हजो पयलो गुरू हो स्वता ताचो बापूयूच.

ह्या सारकें आनीक दुसरें भाग्य तें खंयचे? ल्हानपणा सावन पप्पान म्हजा जिवितांत एका बापायचें कर्तव्य पाळटानाच म्हजा आयुश्यांतलो पयलो गुरू म्हूण भुमिका साकारल्या. साहित्य साधनेची दिकां ताणेंच म्हाका दाखयली. आयजूय तांणे शिकयल्ले धडे गिरयत हांव मुखार सरता. आयच्या ह्या गुरूपुनवेक हांव म्हज्या पयल्या गुरूक पयलें नमन करता. हीं शब्दफुलां म्हजा सगल्यां गुरूंच्या पायां कडेन समर्पित.

- गोकुळदासापूत

समाजीक तत्वां शिकोवचीं

गुरू पौर्णिमेच्या दिसा म्हाका ज्या घरच्यांनी, इश्टांनी, शिक्षकांनी घडयले तांकां सगळ्यांक मना काळजासावन नमन. एक शिक्षक ह्या नात्यान शिकोवपाचे पवित्र काम म्हाका करपाक मेळटा म्हूण हांव म्हाका भाग्यशाली समजता. गुरू ह्या उतरांचो अर्थ जो विद्यार्थांच्या मनांतलो अज्ञानाचो काळोख पयस करून ज्ञानाचो उजवाड घालता. गुरू हो बुद्दीमान, स्फूर्त दिवपी, सर्जक, सहनशील, संवेदनशील आनी समजूतदार आसचो. शिक्षकान शिकवणे पुरतें मर्यादीत रावपाक जायना. तांणी विद्यार्थ्यांची जतनायेन मानसीकताय समजून घेवपाक जाय, तेच बरोबर समाजीक तत्वां आनी जाण शिकोवपाक जाय. दर एका विद्यार्थ्याक समाजीक जापसालदारकी शिकोवपाक जाय, समाजाचो एक सुसंस्कृत आनी सुजाण नागरीक तयार करपाक जाय. आयचे तंत्र गिन्यानाचे जग ह्या जगांत हेरां लागी सर्त करी नासतना आपल्या लागी सर्त करून मुखार वचपाची तांक तांच्यात निर्माण करूंक जाय, शिक्षकांनी फकत ज्ञान दिवपाचेर भर दिवपाचेर भर दीनास्तना विद्यार्थ्यांच्या सर्वांगीण विकासाचेर जाय. तेन्नाच ते विद्यार्थी आयुश्याचेर जैत मेळयतले आनी शिक्षकांच्या शिकवणेक न्याय मेळटलो.

- डॉ राखी वि आमोणकार
(केपें सरकारी महाविद्यालय)

सगळ्यां भितर गुरू आसता

जिणेंत जगताना आमकां जितली आवय -बापायची गरज आसता, तितलीच गरज आमकां गुरूचीय आसता. आवय -बापूय आमकां संवसारांत हाडटात. तर गुरू आमकां ह्या संवसारांत चलपाची वाट दाखयता. शिक्षक हे आमचे पयले गुरू. जे आमच्या भितर ज्ञानाचो दिवो पेटयतात. तर अध्यात्म गुरू आमचो आत्मो पवित्र करपाक मदत करतात. अशें म्हणटात आमी सगळ्या भितर आमचो गुरू पळोवचो. जांणी जांणी म्हळां म्हजे जिणेंत शिकवण दिल्या आनी मार्गदर्शन केलां तांका हांव म्हजो गुरू मानता. म्हज्या गुरूंक शत शत प्रणाम.

- शेवंती नायक
(सेंट झेवियर्स उच्च माध्यमीक विद्यालय, म्हापशें)

आत्मसाक्षात्कार घडोवपी

जय गुरूदेव, खरेंच गुरू सारखें दुसरें दैवत ना. गुरु शिश्याचे ज्ञानाचे दोळे उक्ते करून आत्म साक्षात्कार घडयता, निर्भय करता. शिष्याच्या जिणेचो उद्धार करता.

- सौ. निधी फळारी,
(सेंट झेवियर्स उच्च माध्यमीक विद्यालय, म्हापशें)

गुरुचें म्हत्व

गुरु हो जिणेतलो मार्गदर्शक. तो आमका मार्ग दाखयता. आवय आनी बापुय आमकां सदांच बरे संस्कार दिवपाचें यत्न करतात. जगातल्या दर एका गजालीची जाणीव करुन दितात. मुखार घाल्लें पावल सोंपें जावचें म्हूण तीं यत्न करतात. पक्षी आपल्या पिल्लांक मळबांत उडपाक शिकयतात, तशेच आवय बापुय भुरग्यांक पयली सगळ्यो गरजो शिकवपाचो यत्न करतात. कारण जेन्ना भुरगें घरातल्यां भायर वयता तेन्ना तांका भंय हो दिसपाक जायना म्हूण. हो गुरु समाजान कशे वागपाचे ही शिकवण दिता.

उपरांत जिणेन दुसरो गुरु येता. तो आमकां जगातल्या दर एके गजालीचे गिन्यान दिता. हो गुरु पुस्तका पुरतोच मर्यादीत रावना. तो आमका बऱ्या वायट गजालीची जाणीव करुन दिता. वायट गजालीं पसून पयस रावपाची बुद्द दिता. हो गुरु समाज कसो निर्माण जाता आनी आमचे जिणेक कसो गरजेचो आसा ते शिकयता. गुरु आनी शिष्य ही परंपरा देशान आदीम काळा सावन चालू आसा.

गुरु हो व्हांवते न्हंये सारको आसता. न्हंयेंत बरें आसता वायट बी आसता. मात ती केन्नाच अडूनन रावना. आपलें काम चालू दवरता. तशेंच गुरुचें. ताचे कडे दर एका गजालीचो अणभव आसता. गुरु केन्ना जाती भेद करीना. तो सगळ्यांक समान लेखता.

- करिश्मा कृष्णा ताटे.

पयलो गुरू



पयलो गुरू देव म्हजो
म्हाका गर्भाशयांत पसयलो
जीब आनी जिवणी दिवन
बोम पियोवंक शिकयलो

नाकाक म्हज्या पुडयो दिवन
स्वासांत म्हज्या जीव घालो
तोंडांत म्हज्या दांतऱ्यो लावन
पोटाच्या गिरणीक घांस घालो

दोळ्यांक म्हज्या दृश्टी दिवन
सृश्ट पळोवंक भायर हाडलो
जीव जतूंक श्रवण करूंक
कानाक म्हज्या पड्डो लायलो

गळ्याक म्हज्या कंठ रचून
उलोवपाक स्वर दिलो
आंगार म्हज्या चामडी घालून
हाडां मांसाक रक्षक दिलो

पायांत म्हज्या हाडां घालून
भुंयेर म्हाका उबो केलो
बोंचकुलाक म्हज्या बोटयो रचून
काम करपाचो हावेस दिलो

कुडींत म्हज्या आत्म्यो निरमून
मनशाचो भेस घालो
आत्म्याक मन बुद्द दिवन
जीव म्हणून श्रेश्ट केलो !
प्राणी म्हणून श्रेश्ट केलो !

पुष्पा नायक
8830635504

गुरू म्हजो

गुरू म्हजो दर्या भशेन
सगलो ऐवज ताच्या पोटांत
शिष्यांक सगलें सोदता दिवपाक
घालूंक सोदता तांच्या ध्यानांत

गुरू म्हजो सुर्या भशेन
चारय दिकांनी संस्कारांचो उजवाड
काळखांतल्यान उजवाडा कडेन वचचें
अज्ञानांतल्यान जावची ज्ञानाची वाढ

गुरू म्हजो चंद्रा भशेन
शितळ चांदणें सगल्यांक सारकें
विद्यार्थ्यांनी शिकची शितळसाण
संयमी जावचें गुरू सारकें

गुरू म्हजो वडा भशेन
सावळी दिता भुरग्यांक थंड
गूण भुरग्यांनी हो फुडें व्हरून
दीत रावचो दुसऱ्याक अखंड

गुरू म्हजो साळका शेन
हांसते मुखान परमळपी
रेब्या कोंडाच्या वातावरणांत पासून
विद्यार्थ्यांक फुलोवपी फळोवपी

गुरू म्हजो मुये भशेन
शिस्त,वळण ताणेच लावची
पिठा गुळ्याक आकार दिवून
शिकवण तांची नमळाय शिकची.

- अनघा विठ्ठकृष्ण कामत
8408084270.

लोकभाषेत लोकांचो आवाज

भांगरभूंय

To get the **Free PDF** copy of **भांगरभूंय** on whatsapp daily

Click here and join our official Whatapp Group.

log on to Bhaangarbhuin.com @Bhaangarbhuin

Facebook.com/Bhaangarbhuin